कांसुलो

पुंडलीक नायक

H873
Dr. Dev
PUN

कला चेतना, वळवय निर्मित -
'कांसुलो' (2002)...

कलाकार : सुचिता नार्वेकार, राजदीप नायक आनी प्रेमानंद गुरव



कलाकार : शेखर नायक, हेमंत कांसार आनी सागर नायक

कलाकार : राजदीप नायक आनी सुचिता नार्वेंकार

024873 Ad
Konkani Ad-Drama Devanagary
L:B01-R04 (Dev. Ad)

कांसुलो

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY * MANGALORE *

पुंडलीक नारायण नायक

हांगेलीं रंगमाचयेर आयिल्लीं नाटकां

1) खण खण माती 1977
2) रक्तखेव 1978
3) राखण 1979
4) देमांद 1980
5) मुक्तताय 1980
6) सूर्यसांवट 1981
7) शबै शबै भौजन समाज 1981
8) सुरींग 1982
9) मनशाळी मोनजात (रुपांतरीत) 1982
10) पिंपळ पेटला 1984
11) श्री विचित्राची जात्रा 1986
12) दायज 1990
13) चैतन्याक मठ ना 1991
14) आत्मवंचना 1992
15) परिक्रमा 1993
16) दिश्टदौलत 1995
17) तकली तड्डकी (रुपांतरीत) 1998
18) तिरंगी चक्राचक्री 1998
19) प्रेमजागोर 1999
20) शिरी रे शिरी! अधांतरी! 1999
21) काळजाची काणी 2000
22) प्रेमयुद्ध 2000
23) दिव्या दिव्या दिपत्कार 2000
24) अंता घरा भगवंता 2001
25) कांसुलो 2002
26) धनयां देंवचारा 2003
27) चित्र स्वयंवर 2003
28) सांगोड 2004
29) चतुरंगा 2005
30) कथा अस्तुरी 2008
31) फिंर्गी फटास 2011

* चत्राय : नाटकाच्या मुखावयलें वर्स नाटक रंगमाचयेर आयलां तें वर्स.

कांसुलो

(दोन अंकी)

पुंडलीक नारायण नायक

अपुरबाय
प्रकाशन

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
MANGALORE

CANSULO Konkani Play
by PUNDALIK NARAYAN NAIK

© हेमा पुं. नायक

प्रकाशन क्र. : 94

पयली उजवाडावणी : 2012

उजवाडावपी :
हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय, फोंडें,
गोंय : 403 401

छापपी :
हिरू नारायण नायक
रुतू ऑफसेट,
वळवय, फोंडें,
गोंय : 403 401

अक्षर जुळोवणी :
रिया ग्राफिक्स
ओल्ड-गोवा,
गोंय : 403 402

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल : ₹ 100/-

ISBN : 81-86488-94-4

4873
D8: Dev
Pren

चत्राय :
ह्या नाटकाचो प्रयोग, रुपकार, अणकार, ध्वनिमुद्रण, चित्रिकरण आदि सगळे तरेचे हक, हेमा पुंडलीक नायक हांचेकडेन आशिल्ल्यान ते खातीर तांची लिखीत मान्यताय घेवप गरजेचें आसा. ना जाल्यार कायदेशीर कारवाय जातली

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY MANGALORE

देवू सोनू नायक...

तुकां 'दादा'चो खूब अभिमान!

तुजे खातीरूच म्हाका
सावइडें-कुडचडेंचो मोग जडलो आनी
थंयसरूच हांवें कोंकणी नाटकाचें सपन पळयलें.

– दादा

कांसुलो कसाक लागतना...

'कांसुलो' हे म्हजें पंचवीसावें नाटक. खासा राजदीप नायकाखातीर तें बरयिल्लें. 2002 वर्सा तें रंगमाचयेर आयलें. राजदीपान एका दमान उत्सवी रंगमाचयेर ताचो शतक महोत्सव मनयलो. तें कोंकणी रंगमाचयेर गाजलें हें वेगळें सांगपाची गरज ना. त्या भायर तें व्हीसीडीच्या रुपान प्रदर्शित जालें. कोंकणी नाटकाची ही पयली व्हीसीडी. पूण तें घरांघरांत पावलें तें पायरसीक लागून. राजदीप नायकाकूय ह्या नाटकाखातीर सुमारा भायली प्रसिद्धी लाबली. म्हज्या नाटकांतलें हेर नाटकांपरस हें खुबूच वेगळें नाटक. विशयाचे तेचपरी शैलीचे नदरेन. उत्सवी रंगमाचयेची गरज लक्षांत घेवन तें रचलां पूण नाटकाच्या आशयाकडेन आनी तंत्राकडेन खंयच तडजोड करूंक ना.

एका अशिक्षीत आनी वयल्यावयर दिसपाक अनाडी अशा 'कांसुलो' नावाच्या तरनाट्याची ही काणी. कासव धरून विकप आनी प्रामाणिकपणान आपणालो चरितार्थ चलोवपी हो तरनाटो. आपणाले मोगिकेखातीर तो कसलीं आव्हाना पेलता, तड्‌डकां रचता आनी त्याचबरोबर संदीसादू प्रवृत्तीच्या मनशांची कशी दैना दैना करता ताचें विनोदी ढंगान चित्रण ह्या नाटकांत हांवें केलां. एक Well made play म्हणून हें नाटक गाजलें. सर्वसामान्य मनशाकडेन तुळा करताना 'कांसुलो' पिसो दिसता. ताचें वागप, उलोवप, मुस्तायकी सगळेंच, वयल्यावयर पळोवपाक विक्षिप्त. कांय जाणांक तो 'अॅबनॉर्मल' दिसू येता. पूण दिग्दर्शक श्रीधर कामत बांबोळकार हाणी ताका 'विशेश क्षमतेचो' युवक म्हण आपणाल्या दिग्दर्शकीय कसबान उबो केलो. नाटकांत मुदलाक हास्यरस आसाच पूण तेच बरोबर रौद्र, वीर, शृंगार हेवूय रस प्रसंगाप्रमाण निर्माण जातात. प्रेक्षकांचे मनोरंजन करताना हें नाटक विचारुय करपाक लायता.

'कांसुलो' 2003 उपरांत, 2011 वर्सा, परत तेच संस्थेचेवतीन आनी त्याच नटसंचांत रंगमाचयेर आपलें. 'पुंडलीक नायक नाट्य महोत्सवांत' गोंयभर ताचे एकूण स प्रयोग जाले. त्या भायर एक प्रयोग मुंबय जालो आनी एका दशका उपरांतूय हें नाटक आदलेवरीच नवेंताल्ल आसा म्हणपाचें सिद्ध जालें.

– पुंडलीक नारायण नायक

'कांसुलो' नाटकाचो पयलो प्रयोग, कला चेतना, वळवय संस्थेचेवतीन, सार्वजनीक गणेशोत्सव केपें-गोंय, हांगासर, ता. 12-9-2002 दिसा, सां. 8.00 वरांचेर सादर जालो.

श्रेय नामावळ

1. **कांसुलो**	:	राजदीप नायक
2. **विनोमाम**	:	प्रेमानंद गुरव
3. **कल्पना**	:	सुचिता नार्वेकार / प्रशांती शिरोडकार
4. **बाळा हवालदार**	:	विठ्ठल नायक / राजेश प्यारेलाल
5. **डॉ. शौकीन**	:	हेमंत कांसार
6. **रंगनाथ**	:	शेखर नायक
7. **भरणेश्वर**	:	सागर नायक
8. **इन्स्पेक्टर कश्यप**	:	निलेश नायक / प्रशांत नायक
दिग्दर्शक	:	श्रीधर कामत बांबोळकार
नेपथ्य/रंगभुशा	:	हेमंत कांसार
पार्श्वसंगीत	:	सदानंद नायक
उजवाडा येवजण	:	संदिप खेडेकार
वेशभुशा	:	सुचिता नार्वेकार

पात्रांची वळख

1.	विनोमाम	– मांस–मटणाची चटक लागिल्लो मनीस
2.	कल्पना	– विनोमामाली धूव
3.	कांसुलो	– कांसव धरपी गांवगिरो मनीस
4.	बाळा हवालदार	– विनोमामालो भाचो
5.	डॉ. शौकीन	– नांवाप्रमाण सभावान शौकिन
6.	रंगनाथ	– शाळा मास्तर
7.	भरणेश्वर	– लग्नकार्यां लावपी ब्राह्मण
8.	इन्स्पेक्टर कश्यप	–

WORLD KONKANI LIBARY
Accn No: 004873

अंक : पयलो

(पार्श्वभागाचेर शिर्शक गीत -)

काळे-गोरे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो
धर्तरेच्या कुसव्यांतलो, सैमाचो जीवोपिलो
कांसुलोऽऽ कांसुलोऽऽ

सोंशावांगडा सर्त खेळ्ळो, पयलो इनाम हाका मेळ्ळो
केन्ना सुको केन्ना ओलो, भायर भोलो भितर कोलो
कांसुलोऽऽ कांसुलोऽऽ

(गावांतले विनोमामालें घर. सादेशें. एके वंटीर कांसवाचीं कट्टीं दसयल्यांत कशीं दिसतात. घरांत विनोमाम आनी तागेलें तरनाटें चली कल्पना अशीं दोगांच वावुरतात. विनोमाम सुमार 55 वर्सा पिरायेचो. कल्पना 25/26 वर्सां पिरायेचें चली. घागरो - पोलको वा चुडीदार असो भेस. आयज तें नटून थटून तयार आसा. सकाळचो वेळ. तें उमेदीन घरांतलीं बारीक सारीक कामां करता. कोयर काडप, कपडे सुकत घालप, झाडांक उदक घालप आदी. कामां करता आसताना गीत गुणगुणटा. विनोमामाक तागेले उमेदीची कल्पना आसा. तो सकाळीपुढें भायर सरता. म्हणल्यार धोतर न्हेसला. ताचेर

खोमीस घालता, मागीर कोट चडयता, माथ्याक तोपी घालता. मुठीक सिगार लावन तें फुसकायता. सिगार ओडपाची ही ताची भपकेबाज पद्धत. सिगार ओडीत हांगा-थंय पासयो मारता. तोंडांत पारंपारीक आरत गुणगुणटा. "रसातळाशी जातां पृथ्वी पाठीवरी घेसी। परोपकारासाठी देवा कासव झालासी॥" अदीं मदीं दारांतल्यान, जनेलांतल्यान भायर पळयता. इतल्यान ताची नदर भायर कोणाचेर तरी पडटा. तो खोशयेन ताका हटकिता.)

विनोमाम : आरे, यो यो. खंय रे बाबा? कितले दीस तुजी जागमाग कांय ना. आमकां विसल्लो काय कितें? हांगां आमी तुजी सदांच वाट पळयतात.

(कल्पनाक दिसता, आपूण जाची वाट पळयतां तोच मनीस भायर आयला. तें खुलता.)

आयज कितें हाडलां? कांय ना? हात्तीच्या! हात हालयत आयला. मागीर कित्याक आयला तर? कांय ना म्हणून सांगपाक? हरशीं म्हणून हो रे... (नांवाखातीर आडखळटा) तुजें नांवूच विसल्लों पळय. तुकां मरे धार्जणेंच ना. ना जाल्यार तुजो बापूय. सामको धार्जण्याचो गरवली. तो एकदां दर्यार गेलो जाल्यार रित्या हातान केन्नाच येना आसलो. चणकूल, पालू, तामासो कितेंतरी फावतालेंच ताका. कांसव पासून तो गरोवन काडटालो. कांसव! म्हाका दिसता, तूं दिसनाफुडें झळकें पळून वता. पळ, पळ.

(कल्पनाक आपूण फसलें म्हणपाचे कळटा. तें निरशेता. पूण दाखयना. बापायक ताची अवतिकाय कळटा.) कल्पना, तूं जाची वाट पळयता तो हो न्हय. हो आमचो सदचो नुस्तेकार. आयज कांय ना खंय. तुगेलो मासो आजून उदेवचो आसा. (कल्पना आपणांक कळूं ना अशें भासयता.)

खबर आसा म्हाका, इतले उमेदी वयल्यानूच कळटा, कोणाची

वाट पळयता तें.

कल्पना : नाच जाल्यार. हांव बाबडें सदचे भाशेन म्हजीं कामां करतां.

विनोमाम : बाबडें! सामकें बाबडें! भोळें! पिशें!

कल्पना : (मस्कऱ्यांनी) हांव पळय आं बाबा. म्हाका नस्तीं फकाणां आवडना.

विनोमाम : आयज तुजें वाट पळोवप फुकट वचचें ना.

कल्पना : हांव कोणाची वाट पळयच ना जाल्यार.

विनोमाम : बापायकडेन फट मारूं नाका. हांव म्हजे धुवेकूय वळखतां आनी धुवेचेर मरप्याकूय वळखतां. (पुलीसेचे स्टायलींत सॅल्यूट करीत) अंऽऽ हं.

(कल्पना लजता.)

चड लजूं नाका. लजून कुडके पडत म्हजे धुवेचे. पुंजावपाक आवय ना तुजी. फक्त हांव एकलों बापूय आसा.

हांव खंय खंय म्हणून पावतलों?

कल्पना : (अकस्मात रडटा.) आई गेऽऽ

(इतल्यान विनोमामाची नदर भायर वता.)

विनोमाम : आरे, हो गुणल्यालो बबन न्हय रे तो? तिठ्यार सावन परतता? थंय कितें आयलां? हांव आनीक कित्याची चवकशी करतलो? तें तसलें हुमणाचें आनी तळपाचें न्हय रे. शाकोतेचें कितें आसा? वागोळें, कांसव बी कितें? (फाटी वळून पळय जाल्यार कल्पना रडटा.) आगो बाय एक एक दीस येता असो. ते खातीर अशें रडपाक कित्याक जाय? सकाळीफुडें अशें रडप बरोबर न्हय.

कल्पना : तुवें सकाळीफुडें आवयची याद कित्याक काडली?

विनोमाम : (याद जावन) पाड पडूं ते तुजे आवयचे यादीक. तिची याद सुद्धां तुकां रडयता. (थातारता) वगी, वगी म्हजे धुवे. काय बरें उमेदीच्या घोंसार आशिल्लें पोर म्हजें. मदींच आयली याद. मेली तरी आमची फाट सोडीना ही अवदीसा.

कल्पना : (रडत) बाबा रेऽऽ

विनोमाम : आगो, आतां बाबाच्या नांवान हामेल मारपाक लागलें. हांव जितो आसा मगो. वगी, वगी.

कल्पना : तूं आवयक गाळी मारूं नाका. तुज्या गाळींनी ती मेली.

विनोमाम : गाळीनी मेली? मागीर आतां गाळी मारल्यार जिती जायना मगो? तशें जाल्यार मारीना गाळी. (समजायत) गाळी नाका आं. आमी तिका फुलां घालूंया.

कल्पना : आतां फुलां कोणाक माळटलो? आवय सांगताली, जितेपणी फुलांची एक फांती हाडली ना तुवें तिका.

विनोमाम : फुलांच्यो फांतयो हाडल्यो गो. पूण तिका हाडल्यो ना खऱ्यो. आतां फुलां हाडून घालूंया तिच्या फोटोक.

कल्पना : फोटो खंय? घरांत एक तरी आसा?

विनोमाम : आसतलो. लग्नांतलो, नाजाल्यार तिच्या फुलांच्या वेळावयलो आसतलो.

कल्पना : (उमेदीन) म्हणजे हांव पोटांत आशिल्लें तेन्नाचो?

विनोमाम : हय. तो फोटो फ्रेम करून असो वणटीर लावंया, त्या कांसवाच्या कट्ट्यांभितर. तितलेच वणटीचे एक दोन बुराक लीपतले. मागीर आवयचोय जालो आनी तुजोय फोटो लागलो.

कल्पना : तसलो एक फोटो हांव वतना व्हरपी.

विनोमाम : (ना कळून) वतना? खंय? (कळून) आं. व्हर घोवाघरा. मेल्ले आवयचो फोटो व्हर. थंय व्हरून बेस बरो लाय. राव गो, आनी म्हजो व्हरना?

कल्पना : तूं खंय मेला तर? (जीब चाबून) तूं धडधाकट आसताना म्हाका तुजो फोटो कित्याक जाय? हांव तुकां अश्शें उबारून जाय तेन्ना घेवन वचपी.

विनोमाम : साखर पडूं म्हजे धुवेच्या तोंडांत!

कल्पना : (याद जावन) घरांतली साखर सोंपल्या.

विनोमाम : खबर आसा म्हाका. साखर सोंपल्या तशी च्यायेची पावडर,

कॉफी तिवूय सोंपल्या आसतली. तांदूळ, गंव तेवूय सोंपल्या आसतले.

कल्पना : सोपूना, पूण सोंपपाकडेन पावल्यात.

विनोमाम : तूं भियेवं नाका. हांव सोंपलां तितलेंय हाडटलों.

कल्पना : कशें हाडटलो?

विनोमाम : कशें म्हणजे?

कल्पना : तूं खंय जोडूंक वयता? आवय सांगताली, लग्न जायतपासून आनी लग्नाआदीं लेगीत तुवें एक पैसो जोडूंना.

विनोमाम : (गाळ मारीत) मेली गो तुजी आवय.

कल्पना : मेलीच ती.

विनोमाम : ती मेल्ली सांगताली तें खरें आनी हांव जितो सांगतां तें फट?

कल्पना : कितें तें?

विनोमाम : कांयच जोडीनासताना हो येदो व्हडलो संवसार केलो? तुकां ल्हानाचें व्हड केलें ना? शिकयलें ना? दुयेंत पडिल्ली तेन्ना तुजे आवयक वखद विर्सद केलें ना? मागीर मरतकूच तिचें मर्ण केलें ना? हरवळ्यां तिर्थार व्हरून तिका सोडली ना? आनी आतां वर्सांचीं वर्सां तिचीं श्राद्धां करीना? जोडीबगर हें जाता?

कल्पना : हय जाता.

विनोमाम : कशें जाता?

कल्पना : भाट-बेंस घाणांक दवरून जाता.

विनोमाम : भाट-बेंस घाणांक दवरलें म्हणून तुका कोणें सांगलें? ते मेल्ले आवयन?

कल्पना : हय. जितेपणी सांगलें, आनी तिणें हेंवूय सांगलें, जें घाणांक दवरलेलें तें वेळार सोडोवन हाडपाक जालें ना आनी तें हात्‌चें गेलें.

(विनोमाम अस्वस्थ जावन हात चोळटा.)

आतां हात चोळून कसलोच फायदो ना. आनी भाट-बेंस

म्हाका वयर काडपाक आनी आवयच्या मर्णाक काबार केलें म्हणटा तें खरें न्हय.

विनोमाम : मागीर कित्याक काबार केलें तर तें?

कल्पना : फोल्ग!

विनोमाम : कसलें फोल्ग गो? कसलें वेसन आसा म्हाका? पट, मटको, गडगडो, सट्टो? केन्नाय एक सोर्त काडटां तितली. पाडपडिल्ली तिवूय केन्ना लागना.

कल्पना : जीब! तुजे जीबेचें वेसन खर.

विनोमाम : तें एक आसा. रूचीचें कितेंय खावपाक जीब आनी जीव दोनूय हुळहुळटा.

कल्पना : पयलीं बोकड्याचे शोकोतेक संवकलो. कासीमभायन तुकां सद्दां मटण हाडून दिवचें. बोकड्याचें मटण खातां खातां कासीमभाय भाटाचो कुडको खावन गेलो. मागीर तूं रानधुकराचे शाकोतेक संवकलो. काशिनाथ कासादोरान आत्र्या पयऱ्यान तुका धुकरांचें मास खावयलें. तातूंत रानधुकराचें कितलें आनी घरधुकराचें कितलें तें ताचें ताकाच खबर! देणें थकतकूच ताणें आमच्या शेताचेर हक सांगलो. इतल्या बोवाळान मटणाचो मसालो वांट्टा कुट्टाना आवय फातरीचेरूच झरून झरून मेली. आनी आतां तूं कांसवाचे शाकोतेक संवकला. तो कांसुलो तुकां कांसव हाडून दिता आनी तूं रूची काडून खाता. एक दीस तोवूय–

विनोमाम : (निलाजरेपणान) तो कितें करतलो? खंयच्या भाटाक कुरू मारतलो? आनी कितें उरलां म्हजेकडेन? ही खोंप? जाय जाल्यार घेवून वचूं नाजाल्यार येवन खोंपींत रावूं. ती जाय कोणांक? तूं आतां लग्न जावन चल्लें. म्हजो हुस्को गेलो. आतां उल्लेलो जीव हांव असोच खेळयत दवरतलों. जालें!

कल्पना : बाबा, खरेंच मनापासून सांगतां, म्हाका तुज्या करण्यांचो दोळे फोडून राग येता, तशें तुज्या सभावाचें कवतूकय दिसता.

विनोमाम : खरेंच? कसलो सभाव सांग.

कल्पना : सदांच हांसतें मुख. उमेदी. उमेदीचो घसघसो!

विनोमाम : पुरो पुरो धुवे. खूब जाली बापायची तोखणाय.

कल्पना : आनी जाणां बाबा, सद्दां सकाळीं तूं असो झकपक भायर सरता, कोणूच म्हणचो ना तूं बेकार म्हण.

विनोमाम : तसो हांव बेकार नासतांच गो. दनपार मेरेन गावांत अशी एक पासय मारप. कोणाकूय चार गजाली सांगप, दोन गजाली आयकप. कामूच न्हय तें एक?

कल्पना : हय तर. पूण तुजी आयची उमेद वेगळीच आं.

विनोमाम : आयची उमेद? (याद करीत) आगो, आयज तूं उमेदी म्हण हांव उमेदी.

कल्पना : न्हयच जाल्यार. आयज तुजी जीब आनी जीव हुळहुळपाक लागला.

विनोमाम : (लिपयत) ना गो, ना गो.

कल्पना : म्हाका खबर आसा बाबा, तुकां आयज कांसवाचे शाकोतेची रूच सुटल्या.

विनोमाम : (लाळ पुशीत) ना आं ना.

कल्पना : ना कशी तर! सकाळसान तुजीं लक्षणां पळयतां हांव.

विनोमाम : आतां तुवें याद काडटकूच रूच सुटल्या खरी.

कल्पना : आतांचें निमित्त. तुका सकाळीफुडेंच वेध लागल्या. आनी तुजी संवंय म्हाका खबर आसा. दनपारां जेवणांक कितें आसतलें हाचो विचार तूं सकाळीं हाथरुणाचेरूच करता आनी मागीर तोंड धुता.

विनोमाम : पोर सामकें पारखी. बापायच्या मनांतले सारखें पारखिता. कितले दीस जाले त्या कांसुल्याची जाग ना. तो खंय रावता तेंवूय खबर ना.

कल्पना : गावांत खंयूय भुरग्यांबरोबर खेळटा आसतलो?

विनोमाम : थंयच मळार वचून सोदतां. ना जाल्यार तळ्यार, होंडक्यांनी,

कोणींत, बांयांनी बी आसतलो.

कल्पना : कोण?

विनोमाम : आनी कोण? कांसुलो! कसोय तरी काडटां सोदून ताका. पूण पयलीं तुजी संमती घेवया. मागीर कुरकुर नाकां. तूं तयार आसा मुगो?

कल्पना : (फकाणांनी) हांव कित्याक तयार आसा म्हण विचारता? कांसुल्याबरोबर लग्न जावपाक?

विनोमाम : (कपलार हात मारीत) कांसुल्याबरोबर लग्न? तो लग्न जाल्यार मागीर कांसवाक कोण धरतलो? हांव म्हणटालों, कांसुल्यान कांसव हाडल्यार तूं रांदपाक तयार आसा मूं?

कल्पना : हय. हय. तशें आवयन म्हाका त्या कामांक तरबेज केलां. आनी त्याच कामांखातीर हांव शाळा सोडून घरा आसां न्हय.

विनोमाम : तुवें शाळा तेखातीर सोडूं ना आं.

कल्पना : कित्याखातीर सोडली?

विनोमाम : तुवें सांगू ना म्हाका, पूण तुगेली ती इश्टीण, त्या भटाली भाची, श्यामल काय कोण तें सांगतालें म्हाका.

कल्पना : भंगलें तें. तुजे शाकोतेचें उलय. एका कित्याक? वांगडाच धा कांसवांची शाकोती सांदपाक शकतां हांव.

विनोमाम : (कवतुकान) पोराचे वान्सेचें कवतूक करीत तितलें थोडें. पाडपडिल्ली ही अवदिसा अशा कवतुकाच्या वेळार काडोन वयर गेली.

कल्पना : (रडकुऱ्यां येवन) तुवें आईची याद काडली?

विनोमाम : शी! ना. ना. अशा उमेदीच्या वेळार हांव तिची मेल्लेची याद कित्याक काडटलों?

कल्पना : तिका गाळी संवू नाका रे.

विनोमाम : (समजायत) ना. ना.

कल्पना : कांसव घेवन यो. म्हाका तो खूब आवडटा.

विनोमाम : वा! तुकांय रूच लागली?

कल्पना : ना. खावपाक न्हय. ताचें कट्टें काडून अशें रंगोवन वण्टीर लावपाक.

विनोमाम : लाय. हीं इतलीं लागल्यांत तातूंत आयचें आनीक एक लागूं दी.

(पयसुल्ल्यान आवाज येता. ''काळे - गोरे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो'')

दोगांय : (उमेदीन) कांसुलो!

कल्पना : ही इशारत कांसुल्याचीच.

विनोमाम : रित्या हातान येना जाल्यार पुरो.

कल्पना : कांसुलो रित्या हातान केन्नाच येना.

विनोमाम : तेंवूय खरें. इतल्या तेपान आयला म्हणटकूच रित्या हातान येवंचो ना.

(भायरसावन कांसुले येता. 30-35 वर्सां पिरायेचो धडधाकट मानाय कसो. भेंडार कालसांव - पेंटीचें कापून अर्दे केल्लें. आंगार हातकापें खोमीस. तागेलें खोमीस, मुखावयल्यान कांसवाचो पोंदचो धवो भाग कशें दिसता जाल्यार फाटसून मातकट कोराचो कट्टट्याचो भाग कशें दिसता. गळ्यांत दोरार गुथिल्लें पोंवळें. गळ्या भोंवतणी तांबडो लेंस. दोनूय दंडांक तावजी. मनगटाक कडें. माथ्याक कांसवाच्या कट्टट्याचें रंगयिलें चेपें. चेप्याक मुखार दसणीचें तांबडें फूल. कांसुल्याची चलपाची स्टायल कांसवाभशेन दबकत दबकत पूण तुरतुरीत. तो दिसताय तसोच, कांसवाभशेन. ताणे एक पोती हाडल्या. तातूंत कांसव आसा.)

कल्पना : यो कांसुल्या यो. कितले उमेदीन आमी तुजी वाट पळयतात पळय. बाबा पळयता आपले परीन आनी हांव पळयतां म्हजे परीन.

विनोमाम : कांसुल्या खंय आशिल्लो रे तूं इतले दीस?

कल्पना : बाबाक सामको तुजो हुस्को जालो.

विनोमाम : (फकाणांनी) फक्त म्हाकाच जालो? आनी तुकां जालो ना? तूं परत परत ताची वाट पळय नाशिल्लें काय कितें? पळय, पळोवन पळोवन वाट कितली झरल्या ती!

कल्पना : (त्याच फकाणांनी - आडेचें लजत) पळय आं बाबा! म्हाका नस्तीं फकाणां आवडना.

(तांगेलें उलोवणे आयकून कांसुलो सामको भुल्लूसून वता.)

विनोमाम : कांसुल्या, कितें हाडलां?

कांसुलो : कांसव सोडून कांसुलो दुसरें कितें हाडटलो?

विनोमाम : बरोबर, कांसुलो कांसवूच हाडटलो.

कल्पना : कांसुल्या, कांसव धरताना तुका दुसरें कितेंय मेळ्ळें जाल्यार तूं कितें करता?

कांसुलो : दुसरें कितेंय म्हणगे?

कल्पना : दुसरें कितेंय म्हणजे नुस्तें, कुल्ली-

कांसुलो : तशें जायतें धरतां, पूण धरतां आनी सोडून दितां. कांसव सोडून दुसरें कितेंय धरपाक म्हाका मानवना. पूण तुका जाय जाल्यार हाडटां.

कल्पना : केन्ना हाडटलो?

कांसुलो : तुका जाय तेन्ना.

कल्पना : आत्तां?

कांसुलो : (वचपाक वळटा.) हय आत्तां. तुजेखातीर.

विनोमाम : ह्या ह्या पोराक लागलां खूळ. तो येता थंय आसा. कांसुल्या, तूं ताचें मनार घेवं नाका. हें हाडलां तें दी.

(कांसुलो पोती काडून विन्याकडेन दिता. विनो पिशवी उक्ती करून पळयता.)

जड्डो काय तुपो?

कांसुलो : विन्यामाम, हांव तुकां जड्डो खावयतां? तुपो.

कल्पना : कांसुल्या, जड्डो आनी तुपो - वळखुपाचो कशे?

कांसुलो : हांव कट्टय्वयल्यान वळखतां. (वणटीकडेन बोट दाखयत) हीं सगळीं कट्टीं तुप्याचीं. रंगयल्यांत तरी तीं म्हाका वळखुपाक कळटा.

कल्पना : तूं खऱ्यांनीच हुशार. म्हाका असलो हुशार मनीस खूब आवडटा.

(कांसुलो खूश जाता. कल्पना कांसवाची पोती घेवन भितर वता.)

विनोमाम : कांसुल्या, एक सांग, तूं जाय जाल्यार तुकां सोदपाचो खंय?

कांसुलो : म्हाका सोदपाक कित्याक जाय? हांव तुमचेसरी येयलों म्हणटकूच जालें ना?

विनोमाम : तें जालेंच रे. पूण केन्नाय सामकी जिबेच्या पोतांतल्यान आनी पोटाच्या तळांतल्यान तुजी याद येता तेन्ना तुका सोदपाचो खंय? खंय रावता तें तरी सांग मरे. कोणाकूय तुजेकडेन धाडूं येता, नाजाल्यार गरज पडल्यार म्हज्यान येवं येता. खंय तुजें घर?

कांसुलो : तें सांगप ना.

विनोमाम : कित्याक?

कांसुलो : म्हाका खबर ना.

कल्पना : (येत) कांसुल्या, तूं हे सगळे कांसव खंयसावन हाडटा?

कांसुलो : तें सांगप ना.

कल्पना : कित्याक?

विनोमाम : (कांसुल्याच्या आवाजान) म्हाका खबर ना. (कल्पनाक) तूं ती म्हणणी नकळो? कोणाकूय सुंगटां दिवचीं पूण पोंय दाखोवची न्हय. न्हय रे कांसुल्या?

(कांसुलो मनापासून हांसता. ही ताची हांसपाची खास पद्धत.)

कल्पना : कांसुल्या, म्हाका तुजें घर पळोवपाक जाय.

कांसुलो : दाखयतलों.

कल्पना : केन्ना?

कांसुलो : म्हाका जाय तेन्ना.

विनोमाम : कांसुल्या, तूं म्हण बरो आसा मरे. मनशाप्रमाणे तुजे वेवहार.

कल्पना : हयच जाल्यार. न्हय रे कांसुल्या?

विनोमाम : (फकाणांनी) अं, हं. कांसुल्या, तुमची दोगांयची कितेंय भानगड बी ना मरे? म्हाका दुबाव येता. नाजाल्यार म्हज्या दोळ्यां अस्वडीं दोगांय कांसव-कांसवीण जावन पळून वचशात. पूण पळून वतलीं खंय? कांसवाक म्हणून पळपाक कळटा?

कांसुलो : कयटा, कयटा.

विनोमाम : (हांसत) त्यो काणयांतल्यो गजाली. कांसव तो कांसव. तो पळपाक न्हय, खावपाक.

(कल्पनाक भितर कांसवाची शाकोती करूंक वचपाक खुणायता.)

कल्पना : कांसुल्या, तूं बाबाचें मनार घेवं नाका. ताका तुजीं फकाणां करपाची कूय आयल्या. तुवें कांसव हाडला न्हय रे? तूं जेवणांक रावतलो मरे?

कांसुलो : ना.

कल्पना : राव मरे.

विनोमाम : आगो, वगीच ताका आग्रो कित्याक करता? तो केन्ना आमगेर जेवणांक रावला?

कल्पना : हाचे पयलीं रावलो ना म्हण कितें जाले? आतां रावूं येता न्हय. कितें कांसुल्या?

कांसुलो : हरशीं हांव रावपी, तुगेलें मन तर कशेंच मोडपी न्हू. पूण आयज ना.

विनोमाम : आयज कित्याक ना? आयज कसलो वार तुजो काय कसलें एकवत?

कांसुलो : ना. म्हाका तसलें कांय लागना.

विनोमाम : मागीर?

कांसुलो : हांव शाकोती खायना.

विनोमाम : आब्बा! कांसव धरता आनी कांसव खायना? एक अजाप मरे!

कल्पना : कांसुलो म्हणटा तेंच एक अजाप! न्हय रे कांसुल्या?
(कांसुलो मानेनूच हयकार दिता. कल्पना भितर वता.)

विनोमाम : कांसुल्या, म्हाका खबर आसा. तुजी बाकी खूब थकल्या.

कांसुलो : सगळी.

विनोमाम : बरोबर. आयजवेर तुवें म्हाका इतले कांसव खावयले, पूण आजून हावें तुकां एक पानदुडू फारीक करूंना. पूण हाचो अर्थ हांव तुकां फटयतलों अशें न्हय. खवळान खवळ तसो हांव तुकां पैशान पैसो फारीक करतलों. तेखातीर तुं हुस्को करूं नाका.

कांसुलो : पूण हांव कांसवाचे बदलीं दुडू घेयना. तूं जाणां न्हू विन्यामाम?

विनोमाम : आं. हय. तें खबर आसा म्हाका. तूं कांसव दिता आनी तेबदली तुका जाय तें सामान घेता. आतां तांदूळ कसो कील जाला?

कांसुलो : एका कांसवाक पांच कील.

विनोमाम : आनी नाल्ल कसो?

कांसुलो : एका कांसवाक स. तुपो आसल्यार सात.

विनोमाम : तुवें दिल्ल्या कांसवाच्या बदल्यांत हांव तुकां कितें दिवं? शेताची शिरकोणी काशिनाथ कासादोरान खाल्ली. भाटाचो कुडको कासीमभायन खाल्लो. हांव जालां खाकनवाळ. पूण तुकां हांव फटोवपी न्हय.

कांसुलो : आनी हांवूय म्हाका फटोवन घेवपी न्हू.
(कल्पना भितरसावन धांवत येता.)

कल्पना : बाबा, कांसुल्या कांसव पळ्ळो. पळून वचचो न्हय म्हणून उदारो करून दवरिल्लो. केन्ना परतलो आनी नाच्च जालो.

विनोमाम : आगो पूण वतलो कसो?

कल्पना : कसो म्हणजे? ताका पांय ना? आनी सगळ्या घराक पडल्या

बुराक. खंयच्या बुराकांतल्यान पळून गेलो देवाक खबर!

कांसुलो : कांसव पळोन गेलो! (कांसुलो विन्याक पळयता आनी ताचीं फकाणां मारून आपले पद्धतीन हांसता. विनो आपली फजेत जाली म्हणपाचें मानून घेता.)

विनोमाम : कांसुल्या, तुजेंच खरें. आतां मातसो कांसवाक धरून हाडटा न्हय?

कांसुलो : हांव घरांत कांसव धरीना, उदकांत धरतां.

विनोमाम : खबर आसा रे. पूण चोराच्यो वाटो चोराक खबर! तशें न्हय तें? तो हांगा थंय खंय कडसरला जाल्यार तुकांच ताचो वास लागतलो. मातसो पळय.

कांसुलो : ना.

कल्पना : कांसुल्या, अशें कितें करता? म्हाका बेगीन कांसव जाय.

कांसुलो : कित्याक?

कल्पना : जेवपाक कोण येवपाचो आसा.

कांसुलो : कोण?

कल्पना : ना. ना. कोण ना. ताचें कट्टें काडून थंय वणटीर लावपाक.

कांसुलो : कट्टें काडूक कित्याक? तसोच थंय वणटीर लाय.

कल्पना : लायतां. पूण आदीं ताका सोदून काड न्हय.

कांसुलो : तूं सांगता म्हण सोदतां. पूण तुमच्या घरांत हांव भितर कसो सरों?

कल्पना : कसो म्हणजे? (समजायत) आरे, मागीर तुज्या घरांत हांव भितर सरचें ना? तुवें म्हाका आपोवं ना? तातूंत परकेपण कसलें? समजलें?

(कांसुलो मान हालोवन पटलें म्हणपाचें सांगता.)

चल, मातसो बेगीन.

(कांसुलो मान झटकयता. दोळे किलकिले करता. नाक, कान हातान साफ केल्लेभशेन करता आनी एके विशिश्ट पद्धतीन कांसवाचो सराव घेत, कांसवाभशेन तुरतुरीत भितर वता,

तसोच भायर येता, हांगा-थंय घुंवडाळ्यो काडटा आनी भायर वता.)

विनोमाम : कांसव शेणला भितर. हो भायर कोणांक सोदता? मस्ण्यांक!

कल्पना : उदकांत दडिल्ल्या कांसवाक तो सोदून काडटा. जमनीवयल्याक सोडटा?

विनोमाम : मोटो मालक्रियाद. हांवें सांगल्यार आयकना. तुजें बरें आयकता.

कल्पना : (फकाणांनी) तो म्हज्या मोगांत पडला!

विनोमाम : तशें जाल्यार बरें जालें. म्हाका मरसर कांसव खावपाक मेळटले.

कल्पना : तूं खायशी बरो, पूण ताचें कितें करतलो?

विनोमाम : कोणाचें?

कल्पना : (लजत) अं. हांव सांगना.

विनोमाम : (याद जावन) आं. (पुलीसांचो सॅल्यूट मारून) अंऽऽ हं. येवपाचो जालो. खरें म्हटल्यार येन्ना पावपाक जाय आसलो. (इतल्यान भितरसावन कांसुलो येता. ताच्या हातांत कांसव आसा. कांसवाक पळोवन विन्याक आनी कल्पनाक खोस जाता.)

कल्पना : कांसुल्या, तूं कितलो हुशार मनीस! म्हाका असलो हुशार मनीस खूब आवडटा.
(ताच्या हातांतलो कांसव घेवन भितर वता.)

विनोमाम : आतां सांबाळून. तोपापोंदा धापून घाल. ना जाल्यार परत वचत.

कांसुलो : गेल्यार हांव परत सोदून हाडपी. शेणलो जाल्यार परत हाडून दिपवी. तेचेखातीर.

विनोमाम : तें म्हाका खबर आसा.

कल्पना : तुका खबर आसा देखून तर तुका हांव येळायेळ कांसव हाडून दितां.

विनोमाम : कितें म्हटलें? कित्याखातीर कांसव हाडून दिता?

कांसुलो : तुजे धुयेखातीर.

विनोमाम : कल्पना नांव ताचें.

कांसुलो : म्हाका तें आवडना. म्हणपाकूय कळना. हांव तें बदलतलों. कपी करतलों.

विनोमाम : कांसुल्या, तूं कितें समजता? तें तुजेर मरता?

कांसुलो : मरना तर?

विनोमाम : मेलो तूं! आरे सभाग्या, तें तुजीं फकाणां करता. तें आनी हांवूय. आरे, तुका खबर ना? तें कोणाचेर मरता तें? तागेलें आदींच थरलां. आयज सकाळधरयां तें कितें तुजी वाट पळयतालें? तुजी वाट पळयतालो तो हांव. कांसवाखातीर!

(कांसुल्याक विन्याचें म्हणणे मानवूंक ना.) तो बाळा हवालदार आसा न्हय? तो म्हजो भाचो. कल्पनांक भाच्याक दिवपाचें तें आदींच थरलां. म्हजे भयणीक म्हणजे बाळाचे आवयक हावें तशें उतर दिल्लें.

कांसुलो : (रागान) मरूं ती बांयंत पडून.

विनोमाम : मेली. म्हजेकडल्यान उतर घेतलें आनी तिणें प्राण सोडले. कांसुल्या, हांव कितें म्हणटां तें समजलें तुका?

कांसुलो : ना.

विनोमाम : समजून घे न्हय.

कांसुलो : म्हाका समजोन घेवपाचें ना.

विनोमाम : (समजायत) पळय, अशीं पिशेपणां करूं नाका.

कांसुलो : तुमी म्हाका पिसो करूं नाका.

(भायरसावन बाळा हवालदाराचो उलो आयकूंक येता. "कल्पनाऽऽ")

कांसुलो : (आपलेभितर चडफडत) कपी!

विनोमाम : (समजायत) शी! ताचेहुजीर तूं आनी ताचे होंकलेचें अशे तरेन नांव घेवूं नाका. जाय जाल्यार कल्पना म्हण.

पूण अशें कपी बिपी नाका. समजलें?

कांसुलो : (त्याच रागान) ना.

(भायरसावन बाळा येता. तो पुलीसेंत हवालदाराच्या हुद्द्यार आसा. पुलीसांच्या भेसांतूच आयला. हातांत दांडो आसा. 30-35 वर्सांची पिराय.)

बाळा : (उलो मारीत) कल्पनाऽऽऽ

विनोमाम : तुज्या कल्पनाक कोणे उबारून व्हरूं ना. घरांतूच आसा. इतलो वेळ तुजीच वाट पळयतालें.

बाळा : म्हजी वाट पळयतना जाल्यार आनीक कोणाची पळयतलें? विन्यामाम, आतां परत दनपारां जेवल्या उपरांत वचपाक जाय. रातपाळयेचो सुटलों तसोच आयलों.

विनोमाम : वेवस्तित जेवन चल. राजभर जागरण जालां आसतलें न्हय?

बाळा : हय. हे चोर खूब सवकल्यात. कशेच न्हिदपाक दिनात. तरातरांचे चोर. घरां फोडपी चोर, रानां मारपी चोर, मानशेंतलें नुस्तें चोरपी चोर, मोटे चोर, बारीक चोर, सरायत चोर, भुरटे चोर. (हातांतले पोतयेंतली फांती काडटा, ती कागदाक वा खोल्याक गुटलायल्या. बाकिची पोती विन्याकडेन दिता.)

विनोमाम : हें कितें?

बाळा : पोती घेवन बाजारांत अशी एक पासय मारली. कोणें कोणें कितें तातूंत वडयलां. कोणें टमाट, कोणें बटाट जाल्यार कोणें कांदे.

विनोमाम : तें एक बरें करता तूं.

बाळा : ना जाल्यार हवालदार जाला ताचो उपेग कितें? आनी हवालदार कितें फुक्या सवाय जालां? मंत्र्याकडल्यान विकतो घेतला पोस्ट. आतां ते ना म्हणून बासूं. तांची म्हणून चूक ना.

विनोमाम : कसली चूक ना म्हणटा तूं?

बाळा : ताचें, मंत्र्यांचे म्हणणे-आमी लोकांकडल्यान मतां फुकट घेतां? एक एक मत हजारांक पडटा. म्हणटकूच आमी पोस्ट फुकट

कित्याक दिवपाचे?

विनोमाम : बरोबर.

बाळा : गजाल सांगतालों ती मंत्र्यांची न्हय, चोरांची.

विनोमाम : दोनूय एकूच न्हय ते?

बाळा : हे चोर खूब संवकल्यात. कसल्यो कसल्यो चोरयो करीत ताचो भरवंसो ना. (कांसुल्याचेर लक्ष वता.) आं. हो कोण चोर? हो कोण?

विनोमाम : हो कांसुलो!

बाळा : आं. कांसुलो म्हणटा तो हो? कांसवांचो चोर.

कांसुलो : (आंगार वचत) एऽऽ चोर कोणांक म्हणटा?

बाळा : आब्बा! पुलीसेच्या आंगार येता? ड्युटीर नासलों तरी पुलीसेच्या भेसांत आसां हें विसरूं नाका. चोर म्हटल्यार राग आयलो ? तूं कांसव चोरीना? कोडींतले, तळ्यांतले, होंडक्यांतले, बांयतले कांसव चोरून हाडीना?

कांसुलो : ना. हांव ते धरून हाडटां.

बाळा : (धपकायत) शट् अप्! धरून हाडटां खंय! अशे कांसव धरपाक आनी मारून खावपाक कायद्यान बंदी आसा म्हणून जाणां तूं?

(विनो बाळाक समजावपाचो यत्न करता.)

विनोमाम : ताका चड तापोवं नाका. ताणें आयज आमकां कांसव हाडला.

बाळा . अशें!

विनोमाम : आयज आमगेर कांसवाची शाकोती आसा. कल्पना तेच तयारेक लागलां.

बाळा : कांय हरकत ना. म्हणजे कांसव खावपाक हरकत ना. पूण कांसव धरपाक (आपणाकूच बोट दाखोवन) सरकाराची मनाय आसा हें लक्षांत दवर कांसुल्या.

(विनोमाम सामानाची पोती घेवन भितर वता. बाळा कांसुल्याच्या

चेप्यार दांडो मारून आवाज करता.) वा! कांसुलो! शूर-वीर कांसुलेश्वर! कांसवा सारखो बांयंत वरांचीं वरां बुडून रावता. उदकांत शेंकरे वडोवन कांसव आसा काय ना तें पारखीता. रित्या हातांनी बांयंत उडकी मारता आनी दोनूय हातांत दोन कांसव घेवन वयर येता. कापाज कांसुलो! आयजवेर ह्या भागांतले शेकड्यांनी कांसव तुवें काबार केल्यात. आतां तुका हावें काबार करूंक जाता. म्हाका वळखता?

(कांसुलो ताका मानेनूच न्हयकार दिता.)

अब्बा! बाळा हवालदाराक वळखना? आतां तुका वळख दाखोवचीच पडली. हांव खंय रावतां तें खबर आसा?

(ना म्हणटा.)

तोऽऽ दोंगरावटेन बंगलो आसा तो कोणाचो?

कांसुलो : तो तुगेलो बंगलो म्हण म्हाका खबर ना.

बाळा : म्हगेलो बंगलो न्हय तो. गणपती गांवकारालो. त्या बंगल्याचे कुशीक चाळ आसा. थंय रावता हांव.

कांसुलो : राव.

बाळा : थंय घेवन यो.

कांसुलो : कितें?

बाळा : सोंसों! कांसव सोडून आनीक कितें धरपाक कळटा तुकां? दोन कांसव धरता तेन्ना तातूंतलो एक हांगा हाड आनी दुसरो थंय पाय.

कांसुलो : म्हणगे कांसवाची लावण?

बाळा : हय. तश्यो सगळ्यो लावणी लायल्यात हावें. दुदाची लावण, नुस्त्याची लावण, सोऱ्याची लावण तशी आतां कांसवाची लावण. आनी ते जड्डे बी हाडशी. तुपे.

कांसुलो : तूं कांसवाचे बदलीं म्हाका कितें दितलो?

बाळा : दितां मरे. तसो तुकां फुक्यासवाय सोडटां? लडे दितां लडे!

कांसुलो : लडे? तुजे आवयचो घो -

बाळा : खबरदार. सरकाराक गाळी संवता?

कांसुलो : तुयें म्हाजे कांसव खावन वयल्यान लडे दितलों अशें कित्याक म्हटलें तर?

बाळा : तुजे कांसव? तर्पाशोर! तुजे कांसव म्हणपाक तांकां कितें कुंकडां-बोकडां सारखे पोसता तूं? आनी सरकाराचो कायदो खबर ना तुकां. अनाडी खंयचेकडलो! सांगलां तशें करपाचें. सुबेजपणां करशी जाल्यार ह्या कट्ट्यापोंदचें (चेप्यापोंदचें) कट्टें फोडून भितरलो म्होवलो काडून भाजून खातलों. (चाळयत) कांसवाचो बदलीं कितें दितलो कांय खंय! हेरां मनशांकडेन करता तीच भास सरकारकडेन करता? एक सांग रे कांसुल्या? ते कांसव दिता ते बदलीं लोक तुकां कितें कितें दिता?

कांसुलो : म्हाका जाय तें. तांदूळ, नाल्ल, साखर, गोड, मीठ, मसालो.

बाळा : कांसुल्या तूं ह्या तेपाचो न्हय. बऱ्याच आदल्या काळाचो मनीस आसूंक जाय. ही पद्धत खूब पोरणी मरे!

कांसुलो : जांव पोरणी. म्हाका तीच बरी.

बाळा : आनी एक सांग रे. ह्या आमच्या विन्यामामाक तूं नित्यनेमान कांसव हाडून दिता, तेबदली तो तुकां कितें दिता?

कांसुलो : तेणे आजून कांय दिवं ना. पूण हांव तेचेकडल्यान एके गांठीन घेवपी. तेणें दिलें ना तरी झोंबून घेवपी.

बाळा : कितें घेवपी?

कांसुलो : तेगेलें कपी.

बाळा : कपी? कपी म्हणल्यार कोण? विन्यामामालें माजर काय सुणें? म्हजे म्हायतीप्रमाण विन्यामामागेर माजरूय ना आनी सुणेंय ना. आसा तें एकलें एकसुरें चली! (हातांतली फांती सोडून वास घेत) कल्पना! (अकस्मात याद जावन) तुवें कितें म्हणलें? कपी?

कांसुलो : हय कपी. तेंच तें. हांव तेचेकडेन लगीन जावपी.

बाळा : (अजापान) कितें? तूं तूं कांसुलो कल्पनाकडेन लग्न जावपी? आनी हें कोणें थारायलें?

कांसुलो : म्हाजें लगीन थारावपाक आनी कोण आसा? हांयें थारायलें.

बाळा : तुवेंच थारायलें? तूं कल्पनाकडेन लग्न जावपी हें तूं ह्या सरकाराक, बाळा हवालदाराक सांगता? तूं ताचेकडेन लग्न जातलो जाल्यार हांव कितें करतलों? हांव ही फांती कोणांक माळटलो?

कांसुलो : माळ कोणाकूय. पूण हांव ती म्हाजे कपीक माळूंक दिवचो ना. (ताच्या हातांतली फांती झोमून घेता.) पिसडून वडयतलों.

बाळा : (रागान) कांसुल्या, फांती पिसुडशी जाल्यार हांव तुका पिसडून वडयतलों.

कांसुलो : म्हाका? कुल्लेचे दांगे कशे तुगे हात पांय निखळावन वडयतलों.

बाळा : पयलीं फोडटां तुजें कट्टें. फांती दिता कांय ना? हावें इतले अपुरबायेन हाडलेली फांती, तूं कांसुलो, कितें काय म्हटल्यार झोमून घेता आनी पिसडून वडोव्पाक सोदता? (बडबडत दांडो घेवन ताचे फाटीक लागता, तो हांगा थंय पळटा. ताका चुकयता. इतल्यान भितरसावन विनोमाम आनी कल्पना भायर येतात.)

विनोमाम : बाळा. ताचे फाटीक कित्याक लागला?

कल्पना : कांसुल्या, बाळा, हें कितें आडायलां तुमी?

कांसुलो : हांव पयलुं तेचे वाटेक वचों ना.

बाळा : मागीर हांव तुजे वाटेक गेलां? म्हज्या हातांतली फांती पयलीं कोणे झोमून घेतली? आनी ती कोण पिसडून वडोवपाक सोदी?

विनोमाम : (रागान) कांसुल्या,

(कांसुलो फांती वयलेवयर बाळा वटयां भिरकायता. बाळा ती

जिखता.)

कल्पना : कांसुल्या, बाळान ती फांती म्हजेखातीर हाडल्या म्हण तुकां खबर ना?
(कांसुलो वगी रावता. बाळा फांती कल्पनाकडेन दिता. कल्पना तिका तोखेता. वास घेता.)
वा! बरो वास येता.

विनोमाम : तो वास फांतयेचो न्हय. तुज्या हाताचो.

कल्पना : पुरो. तितलें कळटा म्हाका. तुकां कांय केन्ना एक हाडपाक तांकली ना. म्हजे आवयक हाडपाक तांकलेंना तें तांकलेंना धुवेकूय हाडपाक तांकलेंना. फांती घेवपाक चार पैशे आसले म्हण उपकारना, मोग आसचो पडटा.

विनोमाम : बाळान ती मोगान हाडल्या खरी, पूण ताचेखातीर चार पैशे मोडूं ना. न्हय रे बाळा?

बाळा : मामा, चार पैशे मोडूना खरे पूण चलपाखातीर चार पावलां तरी मोडल्यांत काय ना?

कल्पना : म्हाका फांतयो खूब आवडटा.

बाळा : म्हणून तर हांव, आनीक कितेंय विसरतां, पूण फुलांची फांती विसरना. (याद जावन) मामा, तुजें सिगरेटचें पाकीट हाडपाक विसरलों आनी बाटलीय हाडपाक विसरलों. पाड पडूं!

विनोमाम : वयल्यान पाड पडूं?

बाळा : पाड पडूं म्हजे यादीचें.

विनोमाम : हांव जाणांच आसलों तूं विसरतलो म्हणून. कारण बाजारांत तें पाकीट आनी बाटली कोण तुजे पोतयेंत वडवोपाक ना.

बाळा : मामा, हांचेहुजीर कितली म्हण म्हजी लज काडटलो?

विनोमाम : म्हजे सिगाराचें पाकीटूय सोपलें आनी भितरली बाटलीय रिती. आतां आनी जेवणाक शाकोती. उदारो वडयिल्ल्या कांसवाभशेन म्हजी अवतिकाय जावपाची आसा.

बाळा : तूं भियेवं नाका. जाणें (खाणाची ह्या अर्थान) ही वेवस्था

केल्या ताचेकडल्यान फुडली (ओडपाची आनी पिवपाची ह्या अर्थान) वेवस्था करून घेवंया.

विनोमाम : शी, नाका बाबा. हाचेमुखार आनीक ताची (कांसुल्याची) भानगड नाका.

बाळा : (कांसुल्याचीं फकाणां मारपाची खुमखुमी येता.) हाची भानगड नाका. हाची भानगड परतून उस्तून काडूंया. हरशीं म्हण मामा, तुका याद ना?

विनोमाम : कसली?

बाळा : म्हज्या भुरगेपणांतली. म्हाका कांसवाबरोबर खेळपाक खूब आवडटालें.

विनोमाम : खरें. कांसवाचो पोर हातांत मेळ्ळो जाल्यार तुकां फुटबॉल नाका आनी तो क्रिकेटचो बोलूय नाका आसलो.

बाळा : आतांय ती संवंय तशीच आसा. (मुद्दम) ए कांसुल्या, कल्पनान माळ्ळ्या ती फांती कशी दिसता?

कांसुलो : हांव तुगेर कांसवाची लावण लायतां.

बाळा : खरेंच?

कांसुलो : हय.

बाळा : एक खिणात अकस्मात असो शाणो कसो जालो तूं?

कांसुलो : हांव शाणोच आसां. तुयें तेका जितक्यो फांतयो हाडल्या, तितले तुकां कांसव पावते करतां. बादाबाद. मागीर मात-

बाळा : मागीर कितें?

कांसुलो : मागीर तुंये तेका फांती हाडपाची गरज ना. हाडल्यार हांव ती पिसडून वडयतलों. फांतयेक आनी तुकांय. (कल्पनाक) हांव तुकां जाय तितल्यो फांतयो हाडटलों. एका एका कांसवाची एकेक अश्यो येद्दयो फांतयो हाडटलों. त्यो मागीर माथेंभर माळ आनी गांवभर भोंव.

कल्पना : म्हाका फांतयो हाडपी, तूं म्हजो कोण?

कांसुलो : कोण म्हणजे? तुजो जावपी घोव!

कल्पना : तूं आनी म्हजो घोव? शी!

विनोमाम : (कल्पनाक) हांवें तुकां सांगूंक नासलें, आमचीं फकाणां हो खऱ्यांचेर व्हरतलो म्हणून?

कल्पना : ताणें खऱ्यांनी व्हेल्यार ताचीं पिशेपणां! ताका आमी कितें करतलीं?

विनोमाम : पूण कांसुल्या, कल्पनाकडेन लग्न जावपाचें तुवें चिंतलें तरी कशें?

कांसुलो : कशें म्हणगे? तुकां कांसव खातना कळनासलें?

विनोमाम : म्हणजे कांसवाच्या बदल्यांत हांव तुकां म्हजी धूव दिवं?

कांसुलो : कितें जाता दिवपाक? बोकड्याच्या बदल्यांत कासीमभायक भाट दिलें ना? रानधुकराच्या बदल्यांत काशिनाथ कासादोराक शेत दिलें ना? तशी कांसवाच्या बदल्यांत म्हाका तुगे धूव दी. नाय जाल्यार आनीक कितें आहा तुजेकडेन दिवपासारखें?

विनोमाम : हेंय येवजून तुवें म्हाका कांसव खावयले?

कांसुलो : हायें कितें तुकां तें भरोवंक ना.

कल्पना : ह्या बाबाचे जिबेन पयलीं सगळी वाट लायली.

कांसुलो : ना कपी,

कल्पना : (आंग काडून) कपी?

कांसुलो : हय कपी. हांव तुजो प्रेम करतां कपी. उदकांत बुडोन आसतां तेन्ना पसून तकलेंत तुजींच चिंतनां आसता.

कल्पना : उदकांत बुडून आसता तेन्ना तकलेंत म्हजीं चिंतना? बुडून मरना तूं. आरे पिश्या, हांव तुजेकडेन लग्न जातलें अशें तुवें येवजिलें तरी कशें? तूं कोण आनी हांव कोण? हारशांत पळोवं नासूं पूण तुवें केन्ना तुकां धडेवयल्यान उदकांत तरी पळयला काय ना? तूं एक नंबरचो बोणेर. तुवें केन्ना शिरीची गांठ चिरूं ना. अक्षरशत्रू! आनी लग्न म्हटल्यार कितें फकाणां? तें धा जाणांमुखार, भटा ब्राह्मणासमक्ष जावपाक जाय. हांव तशें तरेन लग्न जातलें आनी एका व्हडल्या घरांत रावपाक वतलें.

आतां तो (बाळा) चाळींत रावूं, पूण मागीर तो रोखडेंच घर बांदतलो. खूब पयस. सहसा कोणूच पावना अशे सुवातेर. मागीर आमी दोगांच थंय रावतलीं. राजा आनी राणी कशीं! कांसुल्या, तुजो ना आगा, ना पिछा. तुवें ह्या कल्पनाकडेन लग्न जावपाचो विचार तरी कसो केलो?

विनोमाम : विचार न्हय, कल्पना तरी कशी केली काय म्हणटां! परत कल्पनाकडेन लग्नाचो विशय काडशी जाल्यार खबरदार. म्हज्या भाच्याजांवयाक वळखना तूं. तो रागाक सामको वाग. गडगडेकार ताच्या पायांकडेन गडगडून येतात. पटकार पटापट पांयांर घालून घेतात. गुन्यांवकार ताका पळोवन कलसावांनी मुततात.

कांसुलो : ते मुतूं. हांव गुन्यांवकार न्हू. हांव कित्याक मुतूं? म्हाजो हिशोब मेकळो केलेबगर हांव हांगचो हालपी न्हू.

(इतलो वेळ शांतपणान आयकुपी बाळा ताळयो मारता.)

कल्पना : तूं आनी ताळयो कसल्यो मारता? ताचो हिशोब मेकळो कर आनी म्हजी विटंबना थांबय.

बाळा : आमी समजता तसो कांसुलो मूर्ख ना. तो शाणो आसा आनी धुर्तूय आसा. सांग कांसुल्या, तुजो हिशोब सांग.

कांसुलो : फाटलीं धा वर्सां हांव हांगां नेमान कांसव हाडून दितां.

बाळा : फाटलीं धा वर्सां? प्रोव्ह, पुरावो कितें? खंय बरोवन बी दवरलां? बरोवन कितें दवरतलो कपल! एक नंबरचो अक्षरशत्रू!

कांसुलो : तेन्ना (विन्याक) तुजी बायल जिती आसली आनी (कल्पनाक) तूं पंदरा वर्सांचें.

विनोमाम : बाळा, आसूं येता.

बाळा : आसूं येता कितें? सारखो पुरावो नाका?

कांसुलो : (बाळाक) हांव पयलेच खेप हांगा कांसव घेवन येयल्लों तेन्ना तूं पुलीस जाल्लो. हेच, असलेच कपडे घालून हांगा येयल्लो. सगळे वाड्यावयले सुणे तुजे फाटीक लागून तुकां

भोंकताले.

विनोमाम : बरोबर. बाळा तेन्ना तूं पुलीस जाला म्हण म्हाका पांयां पडपाक आयिल्लो खरो.

बाळा : कांसुल्या, बरी याद आसा तुकां. हांव पयलेच खेप पुलीसांचो भेस घालून हांगां आयिल्लो आनी तुंवूय पयलेच खेप कांसव घेवन आयिल्लो तरीय वाड्यावयले सगळे सुणे म्हाकाच भोंकताले. न्हय?

(कांसुलो मानेनूच हयकार दिता.)

अशें. म्हणटकूच धा वर्सां आदीं तूं हांगासर कांसव हाडून दितालो हें सिद्ध जालें. आतां सांग. हे कांसव तुवें केन्ना केन्ना हाडून दिले?

कांसुलो : दर बुदवारा नाजाल्यार आयतारा.

विनोमाम : हय. हे खरें.

(बाळा विन्याक मदीं उलोवं नाका म्हण सांगता.)

बाळा : बुदवारच्यो आनी आयतारच्यो तारखो तुकां खबर आसा?

(कांसुलो मानेनूच ना म्हण सांगता.)

बाळा : कांय यादी तरी आसा?

कल्पना : बाळा, हें कितें चलयलां तुवें?

बाळा : हिशोब!

कल्पना : हो कसलो हिशोब?

(बाळा ताका वगी करता.)

बाळा : सांग कांसुल्या बुदवार – आयतारच्यो कांय यादी सांग.

कांसुलो : (याद करीत) एका आयताराक उंटगाराचो पावस पडटालो. एका आयताराक लखलखीत चान्ने पडलेलें.

बाळा : दिसाचेंच?

कांसुलो : न्हू. ते रातिचें. एका बुदवाराक हांव हांगा यो जाल्यार हो विनोमाम मुठीक शिगार नासतना शिगार ओडीत अश्यो उब्यो आडव्यो पासयो मारता.

बाळा : (गोंदळून) म्हणजे?

विनोमाम : म्हणजे केन्ना केन्ना हांव हातांत शिगार नासता तेन्ना लेगीत असो पासयो मारीत आसतां. संवंय म्हजी. पूण खरी गजाल ती.

कांसुलो : एका आयताराक - न्हू बुदवाराक हांव कांसव घेवन हांगां येतना तूं बाजारांत शाक भाज्जेवाल्या बायलांकडल्यान भाजी पुंजायतालो आनी फाटल्यान तेंच्यो गाळी खातालो.

विनोमाम : हें फट आसचें ना.

(बाळा विनोमामाक वगी रावपाक सांगता.)

कांसुलो : एका आयताराक हांव भितर सरला तेन्ना कपी न्हाताले.

कल्पना : शी!

कांसुलो : पूण हांयें तेवटेन पळोवंक ना. तें न्हायसर हांव भायर दारार बसोन रावलों.

बाळा : दाराक कित्याक बसोन रावलो?

कांसुलो : अकस्मात कोणूय भितूर सरत म्हणून.

बाळा : बरें केलें. कांसुल्या, तुज्या बऱ्याच बुदवार - आयतारांचेर विश्वास दवरूं येता. तसो तूं विश्वासू मनीस, पूण हाचो अर्थ तुवें कितले कांसव हाडून दिले ताचो हिशोब जायना.

कांसुलो : तुजे दोळे फुटल्या तर?

बाळा : कितें?

कांसुलो : तीं वणटीवयलीं कट्टीं मेजून पळय.

बाळा : आरे, हय मरे!

(बाळा दांड्याच्या आदारान वटणीवयलीं कट्टीं मेजता. तीं-वणटीच्या एक भागाचेर आसात तशी भितरूच आसात. भितरलीं कट्टीं तो भायल्यानूच दांड्यान मेजता. हाताच्या बोटांनी तसोच पांयांच्या बोटांनी हिशोब करता. एका आंकड्याचेर पातवतूकच ताका अकस्मात धक्को बशिल्लेवरी जाता. तेसरशीं विनोमाम आनी कल्पना ताचेसरीं धांवून वतात. ताका सांवरतात. बाळा दोगांकूय हिसबाचो आंकडो

सांगता.)

बाळा : सुमार पंचवीस हजार इतलो!
(तांकां कल्ल जाता. तिगांय उलयतात.)

कल्पना : आतां कितें करपाचें?

विनोमाम : इतलें दुडू खंयच्च्यान हाडपाचे?

बाळा : तोच मोटो प्रश्न आसा.

कल्पना : बाळा, बाबान खांको वरश्यो केल्यो म्हण तुकां तशें करपाक मेळचें ना. बाबाचें बरें आसा. प्रश्न तुज्या आनी म्हज्या फुडाराचो आसा. दुडवांची वेवस्था कर आनी म्हाका कांसुल्याच्या तोडांतल्यान सोडय. ताका दुडू जाय जाल्यार दुडू दी. ना जाल्यार ताचे पद्धतीप्रमाण ताका जाय तितल्या मोलाचें धान दी. पूण एकदांचो ताचो हिशोब मेकळो कर. म्हाका ताचे पांगेंत रावपाचें ना.

बाळा : ताका कसो मेकळो करपाचें तें हांव पळयतां. असल्या बोणेरांक आमी दुडू फारीक करपाचे जाल्यार आमच्या शिक्षणाचो आनी अधिकाराचो उपेग तो कितें जालो?

कल्पना : म्हणजे तूं ताका फटयतलो?

बाळा : हाका फटोवप म्हणना. हें अशेंच चलत आयलां. आमच्या वयल्यांनी आमकां नाडले ना?

कल्पना : पूण हांव म्हणटा, ताच्या रिणांत आमी आसात हें खरें. जाल्यार तूं तें फारीक कित्याक करीना? तुजेकडेन कितें पैशे ना?

बाळा : बरे पैशे आसले म्हण ते ह्या कट्टीखायच्या कांसुल्याच्या कट्टुलाचेर घालपाचे? आमकां लग्न कार्याचो खर्च ना? लग्न आसा, फळीसोबन आसा, तो हनीमून बी आसा. कितें मामा?

विनोमाम : हय तर. एक लग्न म्हटल्यार –

कल्पना : पुरो. तूं उलोवं नाका. तुका कांसव खातना कळनासलें?

बाळा : (समजायत) हें पळय कल्पना, तूं ताची चींता करूं नाका. ताचो

अशे पद्धतीन हिशोब करतां - पुनरजल्मान कोण आशिल्लो ताची चरचरीत याद जातली. मामा, हांव सांगतां तें मातशें चत्रायेन आयक.

(बाळा मामाक ल्हवू कितेंतरी सांगता. कल्पना थंयचें कडेक सरता आनी कांसुल्या म्हऱ्यांत धांवत येता.)

कल्पना : कांसुल्या, हांव तुकां उतर दितां, बाबा आनी बाळा जर तुजें देणें फारीक करीना जायत जाल्यार हांव तें फारीक करतलें.

कांसुलो : म्हाका तें आत्तां फारीक केल्लें जाय.

कल्पना : कशें शक्य आसा? तूं आत्तां सांगता आनी आत्तां फारीक कर म्हणटा.

कांसुलो : आत्तां फारीक कर म्हटल्यार कितें जालें? सगळे कांसव हायें कितें आत्तां हाडून दिल्या? फाटली धा वर्सांची बाकी.

कल्पना : (गोंदळून) तें जालेंच रे. पूण म्हजें तूं आयकुचो ना?

कांसुलो : आयकतलों. पूण एक सोडून.

कल्पना : कितें तें?

कांसुलो : तूं म्हाजेचकडेन लग्न जातलें.

कल्पना : (रागान) कांसुल्या!

विनोमाम : (कांसुल्याक आपयत) कांसुल्या, आमी तुजो हिशोब केलो. तुवें दिल्ल्या कांसवांचें मोल एक गुदांव तांदूळ आनी एक लॉज नाल्ल जाता. हें इतलें तुकां फारीक करप, म्हज्या मेल्ल्या बापायक आनी कल्पनाच्या जित्या बापायकूय शक्य ना. म्हणटकूच तुवें त्या बदलांत तुकां जाय तें मागपाचें.

कांसुलो : म्हाका कपी जाय.

विनोमाम : हांव जाणाच आसलों, तूं तुजो हट सोडपाक ना. कल्पनाचेर तुजो हक आसा.

कांसुलो : (उमेदीन आड्डता) काळे-गोरे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो!

बाळा : पुरतें आयकून घे. कल्पनाचेर दोगां जाणांचो हक आसा. एक

तुजो आनी दुसरो तुजेपयलीं म्हजो.

कल्पना : बाळा, कसली वांटणी चल्ल्या? शेताची काय भाटाची?

बाळा : तूं मातशें वगी राव. पयलीं आमी आमचे मदलें किजील पालयतां आनी मागीर तुजेकडेन पळयतां.

कल्पना : तुमचें किजील पालयात नाजाल्यार पेत्रोल घालून पेटयात, पूण म्हाका मदीं घालूं नाकात.

बाळा : (ताका थातारीत) कल्पना, मातसो थार धर न्हय. तर कांसुल्या, एके वस्तीखातीर जेन्ना दोगांमदीं वाद उप्रासता तेन्ना दोगांमदीं सर्त लागता, अशें सर्तींत जो जिखता ताका ती वस्त मेळटा. (बाळा कांसुल्याकडेन उलयताना फाटल्यान हातांनी विन्यामामाक सुरू कर म्हण कुरू करता.)

कांसुलो : तशें जाल्यार लाय सर्त.

विनोमाम : वा! हाका म्हणटात खेळगडी.

कांसुलो : कसलेय सर्तीक हांव तयार आसां.

विनोमाम : पळय बाळा, कांसुलो सर्तीक तयार जालो, तुजें कितें?

बाळा : (विचार करून) कांसुल्याबरोबर सर्त म्हणजे मातसो विचार करचो पडलो ना?

विनोमाम : विचार करपाक वेळ ना. तो तयार आसा. तुजें कितें तें सांग. ना जाल्यार –

बाळा : राव, राव हांव तयार आसां.

विनोमाम : तर सर्त आदलीच. आदलीच म्हणजे कांसवाची आनी सोंश्याची.

कांसुलो : हांव कांसव आसांच.

बाळा : म्हणजे हांवें सोंसो जावचो पडलो ना.

विनोमाम : तर दोगांयनी धांवपाचें. कांसवान आनी सोंशान.

बाळा : कोण जिखतलो तें आनीक सांगपाक जाय? आदले काणयेंत कांसवूच जिखलेलो. आतांय तोच जिखतलो.

कांसुलो : (खोशयेन – उडणां मारून) काळे-गोरे आंवसुलो, जड्डो

– तुपो कांसुलो!

विनोमाम : कांसुल्या, बाळा, सारखें आयकून घेयात. दोगांयनी धांवपाचें आनी परत हांगां येवपाचें.

कांसुलो : हांव तयार आसां.

विनोमाम : कांसुल्या सारखें आयक, दोगांयनी रित्या हातांनी हांगासावन धांवपाचें पूण येतना रित्या हातांनी येवपाचें ना.

बाळा : मागीर मामा, कशें येवपाचें?

विनोमाम : येतना एक शिगरेटचें पाकीट आनी एक सोऱ्याची बाटली घेवन येवपाचें.

बाळा : पूण मामा, पाकीट आनी बाटली खंयसावन हाडपाची।

विनोमाम : तेंवूय हावें सांगल्यार सर्त कसली कर्माची तर?

कांसुलो : हांव तयार आसां.

बाळा : बरें तर हांवूय तयार आसां.

(इतलो वेळ कितें चल्लां तें ना कळून बुचकळ्यांत पडिल्लें कल्पना मुखार येता.)

कल्पना : (बापायक) ही सर्त खऱ्यांची? आनी ती म्हजेखातीर चल्ल्या?

विनोमाम : मागीर कितें फकाणां तर?

कल्पना : बाळा, खरें हें?

बाळा : (मान हालोवन हय म्हणटा.)

कल्पना : तशें जाल्यार बाळा तूं मेंगो कित्याक जाला?

बाळा : कांसुल्याकडेन सर्त आसा न्हय.

कल्पना : बाळा असो धीर सोडूं नाका. तुवें धीर सोडल्यार म्हजें कितें जातलें?

बाळा : कल्पना, आतां नशिबांत कितें आसा तेंच जातलें. म्हणजे एकतर तूं कल्पना उरतलें नाजाल्यार तुजें कपी जातलें.

कल्पना : तूं कसोच हारूं नाका बाळा, आनी तूं पुलीस. तूं धांवताना हारलो जाल्यार फक्त तुकांच न्हय सगळे पुलीसेक लज जातली.

मागीर चोरांचें फावतलें.

बाळा : हांव यत्न करतां कल्पना. सामके काळजांतल्यान न्हय, पायांच्या तळव्यांतल्यान यत्न करतां.

कल्पना : म्हज्यो इत्सा तुजेबरोबर आसात.

(कांसलो आनी बाळा दोगूय धांवपाचे तयारेंत रावतात. विनोमाम एक विशिश्ट कुरू करता आनी तांकां धांवपाक सुरवात करून दिता. दोगूय जाण माचयेचेरूच आडवे – तिडवे धांवतात. कल्पना ताळयो मारून आनी उडोय मारून तांकां उत्तेजन दिता. दोगूय दारांतल्यान भायर धांवतात म्हणल्यार बाळा कांसुल्यावांगडा धांवपाचें फक्त नाटक करता आनी दाराकडेन पावतकूच परतता. कांसुलो धांवून तसोच भायर वता. कांसुल्याक फटयलो म्हणून विनोमाम आनी बाळा मोटमोट्यान हांसतात. कल्पना गोंदळटा.)

कल्पना : बाळा, बाबा हीं कसलीं फकाणां चलयल्यांत तुमी?

बाळा : फकाणां न्हय हीं, ही कांसुल्याची करामत.

कल्पना : कांसुल्याची करामत न्हय, कांसुल्याची बिर्मत फुट्टली तुमकां.

बाळा : तुकां कांसुल्याची काकूळट आयली काय पुळको आयलो?

कल्पना : तुमची तीडक आयली. तो सादो भोळो म्हण ताका कसोच चक्रायता?

बाळा : कोण कोणांक चक्रायना.

कल्पना : मागीर तुमी ताका फटोवन कसो धांवडायलो?

बाळा : ताका कोणें फटयला? ताचो तोच फटावला.

कल्पना : आतां ताचें किते जातलें?

बाळा : लग्न.

कल्पना : लग्न? कोणाकडेन?

बाळा : कांसुल्याचें लग्न आनीक कोणांकडेन जातलें? कांसवीणीकडेन. आमी दोगांयनी ताचें येजमानपण करपाचें. विनोमाम

मंगलाश्टकां म्हणटलो. (बाळा आमी विनो मोटमोटच्यान हांसतात. कल्पना गोंदळटा आनी मागीर आपूण ताचे वांगडा हांसपाक लागता. इतल्यान भायरसावन कांसुलो धांवत येता. ताच्या एका हांतात सिगरेटचें पाकीट जाल्यार दुसऱ्या हातांत सोऱ्याची बाटली आसा. तो आपल्या कर्तुत्वाचेर खूश आसा.)

कांसुलो : काळे-गोरे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो!
(विनोमाम बेगीबेगीन पाकीटांतली सिगरेट काडून पेटयता आनी बाटलेची गुड्डी काडून बाटली तशीच तोंडाक लायता.)

बाळा : हावें सांगूंक नाशिल्लें कांसुलो जिखतलो म्हणून? कांसुलो तो कांसुलो. खंयच्याय काळांत आसल्यार तोच जिखतलो. संवसाराचो तसो नेमूच आसा. (पिता तें पळोवन) विनोमाम, कांसुलो जिखलो ताचो सगळ्यांत चड आनंद तुका जालो न्हय? पी. पोटभर पी. विनोमाम, तुज्या सर्तिच्या नेमाप्रमाण आतां ह्या कल्पनाचें कपी जालें. कपी. कांसुल्याचें कपी. (कल्पनाच्या खांदार हात घालता.) यो कांसुल्या, आतां तुगेल्या कपीक व्हर. हातान धरून व्हर. पूण विचार कर. जो हात तुकां नाका तोच हात फुडें कर. यो, कांसुल्या यो. कुटू कुटू करून यो आनी तुरतुरीत कपीक घेवन चल. चल घेवन तुजे धोलींत.

कांसुलो : (तांची चाल वळखून) तुमी म्हाका पिसो करता आनी वयल्यान म्हाका मारपाक सोदता?

बाळा : खबर आसा मरे तुकां? पिसावल्या सुण्यांक मारता म्हणपाचें?

कांसुलो : जायतें खबर आसा.

बाळा : खबर नाशिल्लें आयक. कांसवांक धरपाच्या गुन्यांवाखाला तुका अटक करतां आनी कांसवाचें हांयस दाखोवन चलयांच्या बापांयक फटयल्या- ह्या गुन्यांवाखाला तुकां आग्वादा खडी

फोडपाक धाडटां.

कांसुलो : थंय धाड तुज्या बापायक.

बाळा : कोणाचो बापूय वयर काडटा?

कांसुलो : तुजो.

बाळा : आर्र तूं. म्हजो बापूय वयर काडटा? काळे-गोरे आंवसुल्या, जड्ड्या-तुप्या कांसुल्या. (कांसुल्याचें आनी बाळाचें पेट्टटा. कल्पना बाळाक नेट दिता. विन्याक सोरो लागला. तोवूय बाळाक नेट दिता पूण ताका बाळा खंयचो आनी कांसुलो खंयचो तेंच कळना. तो गोंदळटा. पयलीं बाळा कांसुल्याक मारता पूण मागीर कांसुलो बाळाक मारता. ताचेकडलो दांडो काडून घेवन ताकाच पेट घालता. बाळा हारता. बोबो हुयेली मारता. कांसुलो बाळाक कडेक वडयता. ताचो दांडो ताचेर शेंवटीता आनी कल्पनाक उबारून खांदार मारता. ताच्या माथ्यांतली फांती काडून बाळावटयां मोखता. बाळा आनी विनो ताका आडावपाचो यत्न करतात. विन्याचो पांय लागना. कल्पना खूब प्रतिकार करता पूण कांसुल्याच्या बळामुखार ताचें कांय चलना. तें आरड मारता.खेपता.)

कल्पना : कांसुल्या, तुजें पाड पडूं! तुवें म्हाका खाल्लें रे. बाबा रे तुजेंय पाड पडूं! बाळा रे तुजेंय पाड पडूं! तुमी म्हाका कांसुल्याक खावयलें रे.

(कांसुलो ताका घेवन भायर वता. कल्पना आरड मारीत आसा.)

बाळा : कल्पना, तूं भियेवं नाका. हो बाळा हवालदार आसताना तूं कशेंच भियेवं नाका. हांव त्या कांसुल्याक कसोच सोडीना. आत्तां पुलीस ठाण्यार वतां. कश्यप सायबाक आनी शंबर पुलीसांक घेवन येतां. कट्टटेखायऱ्या कांसुल्याचें कट्टटें कोंचून काडटां. विनोमाम, विनोमाम चल या.

विनोमाम : या, या. खंय या?

बाळा : कांसुल्या फाटल्यान.

विनोमाम : कांसुलो, कांसुलो गेलो.

बाळा : चल, ताचें घर दाखय.

विनोमाम : कांसुल्याचें घर? तें खंय आसा?

बाळा : तुकां खबर ना?

विनोमाम : ना, ना. तें कोणाकूच खबर ना.

बाळा : तागेले कांसव खाल्ल्यात आनी घर खबर ना? चल बेगीन.
(विनोमाम आपल्याच घरांत घुस्पता. बाळा ताका बळजबरीन ओडीत घेवन भायर वता. पार्श्वभागाचेर शिर्शक गीत-)

नाग जालो काडून फोडा, धांवून गेलो धडाधडा
ताच्या धेंकान खालो वागान, सुको बावको पालो
कांसुलोऽऽ कांसुलोऽऽ

(काळोख)

(पयलो अंक सोंपता.)

अंक : दुसरो

(पार्श्वभागाचेर शिर्शक गीत. गांवांपासून पयस सुवातेवयलें कांसुल्याचे घर. घरालागसार आनी लोकवस्ती ना. घर पोरणें. पयलीं व्हडलें आसपाक जाय, पूण आतां पडंग जालां. बसपा उठपाक कांय बसका, मोडिल्ल्या वणटींच्यो वा सोप्यांच्यो. घरांतूच एक बांय आसा. म्हटल्यार बांयची चिऱ्यांनी बांदून काडिल्ली कड दिसता. बांयचे धडेक दोन खांबे आसात आनी ताचेर एक आडबर घातलां. आडबराक एक राजू हुमकळटा. भायर वचपाचें एक दार स्पश्ट दिसता. त्या दाराक भितरसावन आनी भायरसावन घालपाची पोरने पद्धतिची खिळी.
कांय वेळान भायर सावन कांसुलो येता. ताच्या खांदार कल्पनाची पोटली आसा. कल्पनाचे दोळे तांबड्या लेंसान बांदल्या. कांसुलो कल्पनाक खांदावयलें सकयल दवरता तेसरशीं कल्पना ताचेपासून कडेक सरता. दोळे बांदिल्ल्यान सांसपता.)

कल्पना : कांसुल्या, म्हजेर अशी बळजबरी करून तुवें म्हाका खंय हाडलें?

कांसुलो : तुगे घरा. (दोळ्याचें सोडटा.)

कल्पना : म्हगेल्या घरा?

कांसुलो : हय. हें आतां तुगे घर. केदें आसा पळय. मोडोन सुद्धां हें येदें उल्लां. हें गावांपासून कितलें पयस आसा जाणां?

कल्पना : म्हाका कशें कळपाचें? तुवें वाटेर म्हजे दोळे बांदले.

कांसुलो : बांदले खरे. म्हाका भंय दिसलो, मागीर तूं पळोन बी वचत म्हणोन.

कल्पना : (तशेय परिस्थितींत कवतूक करून) ना म्हटल्यार तकली बरी आसा तुका!

कांसुलो : आसाच. मागीर तकलेक लग्नाचें बांदतकूच काय बरो दिसता तो पळय. तूं म्हणटा तशें न्हू. हायें म्हाका जायते फावट उदकांत पळयला. हांव कांसवाभशेन सुंदर दिसता! तुजें आनी म्हाजें जोडें बरें सोबतलें.

कल्पना : तूं आजून म्हजेकडेन लग्न जावपाचीं सपनां पळयता?

कांसुलो : आजून म्हणगे कितें तर? आतां लग्नाक कितलोसो येळ उल्ला?

कल्पना : तूं आत्तां लग्न जातलो?

कांसुलो : हय. सगळी तयारी करून दवरल्ल्या. तुकां जाय तशें लगीन करतां.

कल्पना : तूं खऱ्यांनीच म्हज्या मनासारखें करतलो?

कांसुलो : हय कपी. हांव तुजो प्रेम करतां. तुज्या प्रेमाखातीर हांव कितेंय करीन. कितलींय वरां उदकांत बूड मारून रावन. एकेच खेपे कितलेय कांसव धरून हाडीन.

कल्पना : तें बरें आसा. पूण तुजेकडेन लग्न जावन हांव कितें करूं?

कांसुलो : तूं कांयच करूं नाका. हांगा बसोन राव. तुकां जाय नाका तें हांव पळयतां. तूं माथ्यार लाकडाचे भोरे घेय नाका. तूं कामेरें जावन नडणे - लुवणेंक वचों नाका. तूं घरांत राणी कशी राव.

कल्पना : आनी घरांत बसून खावं कितें कांसव?

कांसुलो : हांव जाणां, तुका कांसव खावपाक आवडना. घरांत सगळें भरून दवरलां. धा कांसवांचे तांदूळ, पांच कांसवांची साखर, चार कांसवांची च्यायेची पूड, तीन कांसवांचें गोड. आनी तुकां

कांसवांचीं कट्‌टीं रंगोवपाक आवडटा न्हू? कट्‌टीं कित्याक,
तूं कांसवूच रंगय आनी आसा तशे उदकां सोड. तुकां जाये
तितले कांसव हांगासर आसात.

कल्पना : कांसुल्या, तूं फक्त कांसवाचीच भास उलयता.

कांसुलो : तीच म्हाका कयटा. तूं म्हाका तुगे भास शिकय.

कल्पना : कांसुल्या, तूं कितलो नेणार. सामको भुरग्याभशेन. हांव, हांव
शिकयन तुकां.

कांसुलो : खरेंच?

कल्पना : पूण तूं म्हाका सोडटलो?

कांसुलो : ना, आनीक कितेंय सांग. तूं सांगता तें सोडटां, तूं सांगता तें
धरतां, सांगता तें आयकतां. सांगता तें मानतां, पूण तुकां लगीन
केले बगर कसो सोडिना.

कल्पना : लग्न जातकूच सोडटलो?

कांसुलो : मागीर कित्याक सोडटलों? म्हाका भुरगीं जाय. म्हाका भुरगीं
खूब आवडटा. पूण तीं म्हाजीं जाय, हक्काचीं. हांव तेंचेवांगडा
खेयटाना तेंकां कोणे आडावपाक जायना. मदींच उलो मारून
व्हरोंक जायना. हांव तेंच्यामदें खेयटलों. हांव तेंकां खेळयतलों,
अशीं अशीं लोळयतलों. दोगां न्हिदल्यार तिगां जागीं उरपाक
जाय. तीं कांसवाच्या पिलांभशेन खूब जाय. इल्लीं इल्लीं
आनी इतलीं इतलीं. कपी, तूं म्हाजी बायल जा आनी म्हाज्या
पोरांची आवय. आमी पोरांनी हें घर भरूंया. (कांसुलो उलयत
उलयत ताचे वटयां वता. तशें कल्पना भियेभियेत फाटीं फाटीं
सरता. फाटीं सरता तें बांयकडेन पावता. धडेर चडटा.)

कांसुलो : कपी, तूं खंय उबें आसा जाणां? बांयचे धडेर. बांयंत
पडटलें.

कल्पना : तूं फाटीं सर. नाजाल्यार हांव बांयंत घालून घेतलें.

कांसुलो : बांयंत घालून घेतलें? ते बांयंत कितें आसा तें पळय.
(कल्पना बांयंत पळयता आनी भंयान व्हडली किळांच मारून

धडेवयल्यान सकयल उडकी मारता.)

कल्पना : बांयंत कितें आसा? जिवाणीं?

कांसुलो : ना. कांसव ते. उदकांतल्यान मानो वयर करून आसात.

कल्पना : ही कांसवांची बांय?

कांसुलो : हय. एकापरस चड कांसव मेयटकूच हांव ते हाडून बांयंत सोडटां. चार दीस कांसव मेयणां जाल्यार बांयंतलो एक कांसव काडून खर्च करतां. बांयंत कांसव पिलां काडटात. हांव तीं व्हरून तळ्यांत, कोंडींत सोडटां. हुंवार येतकूच मागीर हेच कांसव सगळ्याक पावतात. धनगराकडेन बोकडां नात तितले म्हाजेकडेन कांसव आसात.

कल्पना : तुजें कांसवपुराण आयकुपाक खूब बरें आसा. पूण म्हाका तुज्या कांसवांचें पडूं ना. म्हाका म्हज्या जिवाचें पडलां.

कांसुलो : तुज्या जिवाक कसलो धोको ना. जाणां जा, कांसुलो आपल्या जिवाचें कट्टें करून तुकां राखतलो.

कल्पना : (रागान-मोट्यान) ना. हांव तें कट्टें फोडून वचपी.

कांसुलो : ताणशेंव नाका. दसणीच्या फुलासारखें तूं नाजूक. बावून वयतलें.

कल्पना : बावून न्हय. हांव हांगां हुल्पून वतां. (वितरागून) ह्या बाबाचें पाड पडूं! तो कांसव खावपाक पांवू नाका आसलो. आनी त्या बाळाचेंय पाड पडूं! तुजें रीण फारीक करून ताणे म्हाका तुज्या तोंडातल्यान सोडपाक जातालें.

कांसुलो : तेंकां कित्याक खेपता? तेंचे तांकीपरमाणें तेणीं केलें. म्हाज्या बळापरमाण हांयें केलें.

कल्पना : कांसुल्या, तुज्या बळाचो तुकां इतलो अभिमान जाल्यार आतां मुखार यो. एक तर हांव तुकां काबार करतां नाजाल्यार हांगासर म्हजें मडें तरी पातळायतां.

कांसुलो : तुजेकडेन जावपा ना.

कल्पना : कशें जावचें ना तें पळयतां. तुवें म्हाका बळजबरीन हाडलें खरें

पूण आतां हात लावन पळय. अनाडी खंयचेकडलो!

कांसुलो : ना. हांव तुकां हात लावचो ना.

कल्पना : कित्याक? अनाडी म्हणून?

कांसुलो : तुजें म्हाजेकडेन लगीन खंय जालां?

कल्पना : लग्न तुजेकडेन? तुजेसारख्या बोणेराकडेन? तेपरस बांयंत घालून घेवन जीव दियन हांव.

कांसुलो : ना. ते कांसव तुका मरपाक दिवपा ना. आंगाक कातकुतल्यो करतले.

कल्पना : तूं हांव सांगता तें आयकतलो काय ना?

कांसुलो : कितें तें?

कल्पना : म्हाका तुजेकडेन झगडपाचें आसा, मुखार यो.

कांसुलो : म्हाका तुजेकडेन झगडपाचें ना.

कल्पना : तशें जाल्यार हांव चल्लें.

कांसुलो : खंय?

कल्पना : म्हज्या घरा.

कांसुलो : थंय? विनोमाम आनी बाळा हवालदार आसा थंय?

कल्पना : (वितरागान) पाडा पडूं तांचें. हांव खंयूय वचपी. पूण परत तांचें तोंड पळोवपी न्हय. कांसुल्या, म्हाका सोड.

कांसुलो : हांयें तुकां बांदून घातलां तर?

कल्पना : बरें तर.

(पळपाक सोदता. कांसुलो दाराकडेन रावून ताका आडायता.)

कांसुलो : पळोन खंय वयतलें? तुकां वाट खबर ना.

कल्पना : नासूं. वाट मेळटा तशें वतलें. पूण हांगां तुजो सांगात नाका. (वचपाक सोदता. कांसुलो हात घट धरता.) बळजबरीन हात धरचो ना म्हण सांगतालो मरे. आतां कसो धरलो?

कांसुलो : हायें आपूण जावन धरूं ना, तुयें म्हाका धरपाक फोर्सार

केला.

कल्पना : आतां पळयतां तुजो फोर्स.

(हांगा–थंय पळयता. एक कांब कशी कितें ताच्या हातात मेळटा. ताणे तें कांसुल्याक यथेश्ट पेट्टा. कांसुलो हांसत हांसत सगळो मार सोंसता.)

कांसुलो : (मार खायत) मार, तुकां जाय तितलो मार म्हाका. हांयें आजूनपासून कोणाचोच मार खावूं ना. तुजो खातां. तुजोच खावपाक रावलेलों. तुकां जाय तितलो मार म्हाका. म्हाका तो दुखना. मार, कांसुल्याक आनीक मार. (कांसुलो ताचेलागीं वचून ताचेकडल्यान मारून घेता. कल्पना खूब खर्शेलां, कासावीस जालां. ताका घुंवळ येताशी जाता. तें झेलपाटे मारपाक लागता. कांसुलो तशेच अवस्थेंत उठटा. ताकाय बरेच लागलां. कल्पनाक सांवरपाचो यत्न करता.)

कपी, तुका कितें जाता? गरजेभायर तुयें कश्ट घेतले. म्हाका कितें आतांच मारूंक जाय आसलो? लग्नाउपरांत सवकासायेन इल्लो इल्लो मार आसलो. कपी, तुकां कितें जाता?

(कल्पनाक आपणांक कशेंच सावरूंक जायना. तें कोंसळटा. कांसुलो ताका सांवरता. बरे सुवातेर दवरता. तो कांचवेला. हांगा थंय धांवता. घरांत वता. कांदो हाडटा.)

कपी, घे कांदो कपलाक लाय. (मागीर लक्षांत येता, ताका घुंवळ आयल्या.) कपी, चल आमी दोतोरागेर या. चल, हांव तुकां दोतोरागेर व्हरतां. (उखलपाक वता. कसली तरी याद जाता. फाटीं सरता.) नाका. तुकां दोतोरागेर व्हरपाक नाका. (कितेंतरी थारायता.) कपी, हांव रोखडो येतां. तूं अशें राव. (तसोच ताकतिकेन धांवत भायर वता. भायर वतना दाराक भायरसावन खिळी घालता.)

(कांय वेळान कल्पना भानार येता. सडसडीत उठटा. हांगा – थंय पळयता. कांसुल्याची जाग घेता. घरांत भितर पासय

मारून येता. ताका कांसुलो ना म्हणपाची खात्री जाता. तें ल्हवूच पळून वचपाक भायल्या दाराकडेन वता. दार उक्तें करपाचो यत्न करता. पूण भायल्यान खिळी घातिल्ल्यान दार उक्तें जायना. दार धाडायता.)

कल्पना : (उलो मारता.) कांसुल्या, कांसुल्या. म्हाका अशें एकटें वडोवन खंय गेलो रे? तूं येवचें आदीं जीव काबार करतां. जितेपणीं हो जीव कसोच तुज्या हाताक लागूंक दिवचें ना.

(जीव दिवपाक बांयकडेन वता. धडेर चडटा. भितर पळयता. कच्च करून आंग काडटा. फाटीं परतता. भायरसावन कांसुल्याची जाग येता. ताणें खांदार मारून एका मनशाक हाडला. ताच्या दोळ्यांर आपलो तांबडो लेंस बांदला. एका हातांत दोतोराचें बॅग आसा. खांदावयल्या मनशाक सकयल दवरता. ताच्या दोळ्यांवयलो लेंस सोडयता. हो डॉ. शौकीन. पिरायेन 45/50, दोतोराचे भेस. तो काचाबूल जाला.)

शौकीन : म्हाका हांगा कित्याक हाडला?

कांसुलो : तपासपाक.

शौकीन : कोणांक? तुकां? (पळयत) तुकां बरेंच लागलां.

कांसुलो : म्हाजें सोड. तें आपशींच पेकतलें. (कल्पनाकडेन बोट दाखोवन) हेका पळय.

शौकीन : हाका कितें जालां?

कांसुलो : घुंवळ येयली.

शौकीन : कशी?

कांसुलो : तें म्हाका कशें कळटलें? तेकाच विचार.

शौकीन : विचारपाक तें शुद्धीर आसपाक नाका?

कांसुलो : तेका शाबुद्धीर कोणें हाडपाचें?

शौकीन : हांवें.

कांसुलो : मागीर तुजें काम कर.

शौकीन : पूण राव रे. तुवें म्हाका बळजबरीन उबारून कसो हाडलो?

हांव थंय म्हजे डिस्पेन्सरींत म्हज्या पेशंटाक तपासतालों.

कांसुलो : बायलमनशेक तपासतालो.

शौकीन : मागीर कितें जालें? आतां ही बायलमनीस न्हय? ती मिसेस एकोडे. तिका थंयच सांडून म्हाका हांगा हाडलो तुवें. दोतोराक हाडपाची ही पद्धत? खंय भायर व्हिजिटाक वतना गाडयेशिवाय भायर सरना हांव. तूं कितें काय म्हणल्यार खांदार मारून हाडटा म्हाका? (धपकायत) दुसरे फावट अशें करतलो न्हय.

(कांसुलो मानेन हयकार दिता. दोतोर कल्पनाक तपासपाखातीर वता. याद जावन)

ती मिसेस एकोडे एक सिरीयस पेशंट आशिल्ली.

कांसुलो : पूण हांयें कितलो येळ बुराकांतल्यान पळयलें?

शौकीन : (कांचवेत) कितें पळयलें?

कांसुलो : तूं तिका तपासत आशिल्लो.

शौकीन : सांगलें न्हय, सिरीयस पेशंट म्हणून.

कांसुलो : आनी भितरल्ल्यान तुयें दाराक खिळी घातलेली.

शौकीन : (याद जावन) हय मरे. मागीर भितर कसो आयलो तूं?

कांसुलो : वयर नळ्यांतल्यान सकल देंवलो आनी तसोच तुका उबारलो.

शौकीन : बरोबर. पूण ताचे आदीं दोळे बांदले म्हजे.

(कांसुलो मान हालयता. दोतोर आनीक कितें उलोवचे आदीं-)

कांसुलो : पयलीं तेका तपास. पूण सांबाळून.

शौकीन : सांबाळून म्हणजे?

कांसुलो : तिका थंय तपासतालो तशें हेका तपासपाक नाका.

शौकीन : कशें तपासप तें तूं म्हाका सांगतां? दोतोर हांव काय तूं?

कांसुलो : तूं.

शौकीन : पूण हाका तपासपाचें कशें?

कांसुलो : कशें म्हणजे?

शौकीन : (ताका समजता ते भाशेन) तपासपाचीं आयिद्दां नाकात? म्हजी बॅग थंय दवाखान्यांत उरली.

कांसुलो : हाडल्या, हाडल्या. (कुशीक दवरिल्ली डॉक्टराची बॅग हाडून ताचेकडेन दिता.)

शौकीन : (पळोवन) ही कोणाची बॅग?

कांसुलो : दोतोराची.

शौकीन : खंयच्या दोतोराची?

कांसुलो : तें तुकां कित्याक?

शौकीन : म्हणजे म्हाका उखलून हाडला तशीच कोणातरी दोतोराची बॅग उखलून हाडल्या?

कांसुलो : पयलूं जंय गेल्लों थंय दोतोर नाशिल्लो, बॅगूच आसली. ती उबाल्ली मागीर तुकां उबाल्लो.

शौकीन : ती उक्ती करपाक जाय.

कांसुलो : करतां. (कोयत्यासारखें कितेंतरी आयिद्द घेता आनी बॅगाच्या खांचीनी घालून उक्तें करपाचो यत्न करता.)

शौकीन : तें कितें कांसवाचें कट्टें काडटा?
(कांसुल्याक राग येता. डॉक्टर बॅगाचें लॉक काडून बॅग उक्तें करता. याद करीत) कांसुलो म्हणटा तो तूं रे?
(कांसुलो मानेन हयकार दिता.)
कांसव धरता ते धरता, असलींय कामां करता तर तूं?

कांसुलो : कसलीं?

शौकीन : मनशांक उबारून हाडपाचीं.

कांसुलो : हांव तुजें कितें आसा तें फारीक करतलों.

शौकीन : तें फारीक करपाचें बरें आसा. एका सिरीयस पेशंटाक सोडून म्हाका हांगा येवचें पडलें ना? जांव, होवूय म्हणून पेशंटूच. हें कोण तुजें?

कांसुलो : कोण न्हू.

शौकीन : कोण न्हय? म्हणजे?

कांसुलो : म्हणगे म्हाजी जावपा बायल.

शौकीन : तुजी जावपी बायल? तें हांगासर आपले खोशयेन आयलां? (कांसुलो हयकार दिता. डॉक्टर बॅगांतलो स्टेथोस्कोप काडून कल्पनाक तपासता. तपासताना उलयता.)

शौकीन : आपखोशयेन आयलां जाल्यार घुंवळ येवन कशें पडलें तर? (कांसुलो वग्गी.)

(समजून) म्हजेसारखेंच खांदार मारून हाडलां मरे? म्हणून म्हणलें, कांसव धरपा वांगडा असलींय धरून हाडपाचीं कामां करता तूं. एकदां धरिल्ल्या कांसवाक काय तूं परत उदकांत सोडिना. आमकां सोडटलो मरे?

कांसुलो : हय. तुमकां हांव परत उदकांत - तुमकां परत आसा थंय सोडटलों. पूण फक्त तुकां, कपीक न्हू.

शौकीन : हो कपी कोण?

कांसुलो : हेंच, तूं तपासता तें.

शौकीन : सुंदर आसा!

कांसुलो : म्हागे बायल ती.

शौकीन : (तपासून जालां.) तेच खातीर म्हटलें, सुंदर आसा. तिका बरेभाशेन सांबाळपाची. लग्नाआदीं आनीक घुंवळबी काडपाची ना. बद्द लग्न जातकूच घुंवळ-ओंकारे बी काडपाचे. समजलें?

कांसुलो : तें आतां शाबुद्दीर येतलें?

शौकीन : येतलें म्हणजे? म्हजो हात लागला म्हणटकूच येवपाकूच जाय. पूण ताचे आदीं ताका एक इंजक्शन दिवचें पडटलें.

कांसुलो : इंजेसांव? तें सूय मांसांत रीगयता तसलें?

शौकीन : बरें खबर आसा मरे तुकां.

कांसुलो : तें तसलें सुयेचें तेका तोपूं नाका. दुखतलें.

शौकीन : बरी काळजी आसा मरे आपले बायलेची. इंजक्शन सुयेचेंच करचें पडटलें. पूण ताका मुयेचें पासून दुखचें ना. समजलें?

(कांसुलो खोशयेन हयकार दिता. दोतोर बॅगांत इंजेक्शन सोदता.)

कांसुलो : इंजेसांव करतकूच तें सारखें जातलें?

शौकीन : सामकें सारखें. लग्नाच्या सव्यार उबें रावता इतलें सडसडीत.

कांसुलो : तशें जाल्यार हांव रोकडोच इंजेसांव घेवन येतां. (शिटकायत) पूण दोतोर, हांव येवचे पयलीं तें शाबुद्दीर येवंक फावना. समगलें?

शौकीन : आं? ना, ना. हांव ताका कशेंच शुद्धीर येवपाक दिना.

कांसुलो : (शिटकायत) आनी मतींत धर. म्हाज्या कपीक कांयच जावपाक फावना. तूं परत घरा पावचो ना. समगलें?

शौकीन : राव, कसलें इंजक्शन जाय तें बरोवन दितां.

कांसुलो : तेचो उपेग कितें? म्हाका वाचपाक कळों नाका?

शौकीन : तुकां कित्याक वाचपाक कळूंक जाय? फार्मासवाल्याक कळल्यार पुरो.

कांसुलो : कांय गरज ना. (शिटकायत) दोतोर, सांगलां तें.

शौकीन : ती काळजी करूं नाका. मिसेस एकोडे तशें हेंवूय म्हजें पेशंट मिसेस कांसुलो.

(कांसुलो भायर वता. वतना भायरसावन दाराक खिळी घालता.)

शौकीन : फक्त इंजेक्शनूच हाडल्यार पुरो. फार्मासवाल्याक हाडीना जाल्यार पुरो. (हांगा थंय नदर मारता. बांयचेर नदर पडटा.) बांय! (घरांत भितर पळयत) आवयस! येद्या व्हडल्या घरांत कोणूच ना. कोणूच ना म्हणल्यार हांव आनी मिसेस कांसुलो. (ताका नियाळटा.) योगोयोग सुद्धा कितलो सुंदर आसता. मिसेस एकोडेक तपासतालों. थंयसावन हांगा आयलों आनी मिसेस कांसुल्याक तपासपाचें पडलें. मिसेस कांसुलो! (लागीं वता. तेसरशीं आड पडिल्लें कल्पना सडसडीत उबें रावता.)

शौकीन : तूं? तुका घुंवळ येवंक नासली?

कल्पना : (दुबावान) पूण तुजो हात लागनाफुडें घुंवळ निवळ्ळी. कुशीक सर.

शौकीन : हांव, हांव डॉक्टर –

कल्पना : डॉक्टर शौकीन.

शौकीन : तूं म्हाका वळखता?

कल्पना : हय, खूब लागसान वळखता.

शौकीन : पूण तूं म्हाका वळखिचेंशें दिसना.

कल्पना : कशें दिसतलें? तुमचेकडेन कितले पेशंट येता आनी कितले वता.

शौकीन : तरी लेगीत वळख उरताच.

कल्पना : तुमकां नासूं पूण म्हाका मात तुमची वळख बेस बरी उरल्या. एकदांच हांव तुमच्या दवाखान्यांत आयिल्लें. सकाळधरयां दवाखान्यांत बसून आशिल्लें हांव. पूण तुमी म्हाका सामकें निमाणे आपयलें. सगळे पेशंट तपासून जातकूच.

शौकीन : सिरीयस केस आसता तेन्ना तांकां आमी निमाणे दवरतात.

कल्पना : सिरीयस आसता तांका निमाणे?

शौकीन : निमाणे म्हणजे तांका वेवस्थीत तपासपाखातीर.

कल्पना : तें समजलें म्हाका. म्हाका सादी थंडी जाल्ली पूण म्हाका कॅन्सर बी जाल्लेभशेन तपासपाक सोदताले. तुमच्या हातांतल्यान सुटून पळून गेलें हांव.

शौकीन : बरोबर. पळून गेलें खरें पूण आतां परतून म्हज्या हातांत सांपडलें.

कल्पना : कितें?

शौकीन : म्हणजे आतां पेशंटूच म्हणून तूं म्हज्या हातांत पडलां.

कल्पना : तुमच्या हातांत बी कांय ना. म्हाका हांगा उबारून हाडलां.

शौकीन : तें म्हाका खबर आसा मिसेस कांसुलो.

कल्पना : मिसेस कांसुलो? तोंड फोडटलें धरून. हांव मिस कल्पना. त्या कांसुल्याचें कपी न्हय आनी मिसेस कांसुलो तर निखालस

न्हय. हांव जाता तितले बेगीन हांगासावन पळपाक सोदतां.

शौकीन : आनी हांव तरी हांगा रावपाक आयलां? मिसेस कांसुलो, सॉरी! मिस कल्पना, जशें कांसुल्यान तुका उबारून हाडलां तसो म्हाकाय.

कल्पना : खबर आसा म्हाका. सगळें आयकलां हांवें. ह्यान फुडें तुमी म्हाका हात लावपाची गरज ना. व्हदळ नाइलाज म्हणून कांसुल्याच्या भंयान मोन्यानी सोंसलें हांवें.

शौकीन : म्हाकाय म्हणून तुमकां तपासपाची मोटी उमेद ना.

कल्पना : कित्याक आसतली? मिसेस एकोडेक तपासताना सगळी उमेद भागल्या आसतली.

शौकीन : तूं मिसेस एकोडेक सारखी वळखना.

कल्पना : वळखतां. घोव भायर आसता तिचो.

शौकीन : मिस कल्पना, तूं गरजेभायर फाटलो राग वयर काडटा. हांव तें सगळें विसरलां. तूंवूय विसरून वच. आतां ह्या वेळार आमची दोगांयची स्थिती हुंवारांत सांपडलेल्या ते काणयेंतल्या दोन कळशां सारखी. एक कळशी (आपूण) तांब्याची दुसरी कळशी (तूं) मातयेची. समदुःखी. आमी दोगांयनी एका सांगातान रावून ह्या हुंवाराच्या संकश्टांतल्यान तड गाठूंक जाय. (ताच्या लागीं वता.)

कल्पना : कुशीक सर. आमी हुंवाराच्या संकश्टांत सांपडल्यांत खरीं. तूं आनी हांव दोन कळश्यो हेंवूय खरें. आनी तेचखातीर म्हाका पयलीं तुजेपासून सावध रावपाक जाय. कारण तूं तांब्याची कळशी, हांव मातयेची. सांगातान रावप म्हणजे खंयच्याय खिणांक तुका आदळून म्हजीं कैलां जावप. तेपरस आमी दोगांय अशीं अंतरार रावून आमचेमुखार आयिल्ल्या संकश्टाक फुडो करूंया. सारखें न्हय डॉक्टर शौकीन?

शौकीन : तूं बरेंच हुशार!

कल्पना : मदींच शाळा सोडची पडली, नाजाल्यार हाचेपरस हुशार

जावपाचें.

शौकीन : इतलें हुशार जाल्यार ह्या कांसुल्याच्या कोंबल्यांत कशें सांपडलें?

कल्पना : आनी तूं येदो व्हडलो दोतोर आसून ते पिडेच्या तोंडांत कसो सांपडलो?

शौकीन : तें तुकांय खबर आसा. मातसो घाळ आसता तो असोच फारावता. पूण म्हजें बरें आसा. हांव कांसुल्याचो खिणाचो सोयरो. ताचें काम जालें म्हणटकूच तो म्हाका सोडटलो पूण तुजें कितें जातलें मिस कल्पना?

कल्पना : म्हजें कितें जातलें ताका तोंड दिवपाक हांव समर्थ आसां. तुमकां कितें दिसता डॉक्टर शौकीन? हांव तुमकां बदलें ना तें ह्या कांसुल्याक बदपी?

शौकीन : ना बदूं. पूण सद्याक तरी तूं ताच्या जाळ्यांत पडलां हें खरें. आतां तूं आनी तुजें नशीब!

कल्पना : म्हज्या नशिबाचें बरें आसा. तें हांव बदलूनय वडयन. (भायरसावन कांसुल्याची जाग येता.)

शौकीन : (हांसत) कांसुलो आयलो. (याद जावन – भिरांतेन) कांसुलो आयलो. ताणे सांगिल्लें आपूण येवचेआदीं तुवें शुद्धीर येवपाक फावना. तो म्हाका सोडचो ना. मिस कल्पना, प्लीज, मातशें हांगा घुंवळ येवन पड.

कल्पना : घुंवळ येवन?

शौकीन : घुंवळ येवन पडपाचें नाटक कर. हांव तुकां तपासपाचें नाटक करतां, इंजेक्शन करपाचें नाटक करतां. प्लीज.

कल्पना : तपासप बी कांय ना. हात लावं नाका म्हाका. आनी इंजेक्शन बी निखालस नाका. तसलीं नाटकां म्हजेकडेन नाका. समजलें?

शौकीन : समजलें. पूण त्या कांसुल्याक समजुपाक जाय न्हय? तो पयलीं अनाडी!

कल्पना : (त्रोस मारून) शिकिल्ल्यांनी कितलो उजवाड घातला तो दिसता!

शौकीन : प्लीज. म्हज्या जिवाखातीर. हांव मेलों जाल्यार तुजें आनी कांसुल्याचें लग्न सुतकाखातीर अडून उरतलें.

कल्पना : तुज्या मर्णान आमकां सुतक जावपाक तूं कोण आमचो दायजी - गोत्री? आनी कांसुल्याच्या आनी म्हज्या लग्नाची वान्सा धरपी तूं कोण?

शौकीन : चूक जाली.

कल्पना : तशें जाल्यार भोग आपले चुकीची ख्यास्त.

शौकीन : प्लीज मिस कल्पना. हे खेप म्हाका कांसुल्याच्या तोंडांतल्यान वांटय मागीर परत केन्नाच हांव तुका तपासपी न्हय म्हणजे परत केन्नाच तुजे वाटेक वचपी न्हय. सोपूत घेवन सांगतां.

कल्पना : पूण फक्त नाटक आं.

शौकीन : हय. फक्त नाटक.

(कल्पना आदले सुवातेर तशेंच पडून रावता.)

(आपले भितर) यो, कांसुल्या यो.

(भायर सावन खिळी काडून कांसुलो येता. ताच्या एका हातांत एक प्लास्टीकची पोती, तातूंत इंजक्शनां, सुयो आसात. खांक्यांत कांय पुस्तकां, नेमाळीं बी आसात. खांदार एका मनशाक घालून हाडला. ताचें तोंड लेंसान बांदलां. कांसुलो त्या मनशाक एकिकडेन उबो करून दवरता. खाक्यांतलीं पुस्तकां कुशीक कांडून दवरता आनी पोतयेंतलीं इंजेक्शनां घेवन डॉक्टरा म्हऱ्यांत येता.)

कांसुलो : दोतोर इंजेसांवां हाडलीं.

शौकीन : बरें केलें. (मनशाक पळोवन) पूण ह्या फार्मासवाल्याकूय कित्याक हाडलो?

कांसुलो : (इंजेसांवां दीत) हितूंतलें खंयचें इजेसांव तें सोदून काड. हांयें तीं अशींच पोचको मारून हाडल्यांत.

शौकीन : बरें केलें. पळोवपाक बसल्यार वगीच वेळ वचपाचो. तो म्हणसर हें तुगेलें कपी - (कल्पनाक राग येता.) हें कल्पना शुद्धीर येतलें आसलें. हावें ताका तशेंच दवरलें.

कांसुलो : तेका इंजेसांव कर आनी सारखें कर.

शौकीन : तूं भियेवं नाका. तुवें पळय उखलून हाडला तो सादो दोतोर न्हय. आरे, फूंक मारून हांव दिवो पालवचो तसो पेशंटाक – पेशंटाची दुख पालयतां.

कांसुलो : तें तसलें फूंक मारपाचें काम घाडी – भगत करता न्हू?

शौकीन : (आपलेभितर) हांवूय तसलोच एक घाडी! (एक इंजेक्शन तयार करता.) आतां पळय, खरें म्हणल्यार हें इंजेक्शन आतां हांवें पेशंटाक तोपपाचें.

कांसुलो : तोंपपाचें म्हणगे? तोंपपाकूच जाय न्हू?

शौकीन : पूण हांव तें ताका तोपचों ना.

कांसुलो : (कडेक सरत) मागीर कोणांक तोपतलो?

शौकीन : तीच तर मजा पळय न्हय. हें इंजेक्शन अशें हांव हवेंत सोडटां आनी तेवटेन म्हजो पेशंट कसो उबो जाता तो पळय.

(कल्पना पडून रावलां ते सुवातेपासून दुसरे सुवातेर पयस फाट करून रावता. कल्पनान सहकार्य करचें म्हण देवाक प्रार्थिता.)

अं, अं, अं.

(कांसुलो एकेवटेन कल्पनाक जाल्यार दुसरेकडेन दोतोराक पळयता. इंजेक्शनाची शिळकी हवेंत उडटा तशें ल्हवू ल्हवू कल्पना शुद्धीर येता. कांसुलो खूश जाता.)

कांसुलो : (उमेदीन आड्डता) काळे-गोरे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो!

शौकीन : (आपलेभितर) पराक्रम आमचो आनी जयजयकार तुजो! (कांसुल्याक) म्हजेर खूश?

(कांसुलो मानेन हय म्हण सांगता.)

शौकीन : तशें जाल्यार म्हाका तूं तुजो फॅमिली डॉक्टर कित्याक

करीना?

(कांसुल्याक अर्थ कळना.) फॅमिली डॉक्टर म्हणजे तुगेल्या कुटूंबाचो दोतोर. मागीर तुगेलो कोणूय बरो ना जालो जाल्यार हावें ताका वखद – विर्सद करपाचें.

कांसुलो : तशें जाल्यार जा तूं म्हाजो तसलो दोतोर. तुकां हारोहार फारीक करतां.

शौकीन : पूण तुजी फामील, कुटूंब खंय?

कांसुलो : (बांयत) थंय आसा.

शौकीन : (बांयंत पळयत) भितर कोण आसा?

कांसुलो : कांसव! म्हाजी फामील.

शौकीन : अशें! तातूंत कोण बरे ना?

कांसुलो : जड्डे!

शौकीन : तांकां कितें जालां?

कांसुलो : ते परत परत हळशीक सोडटा. तेंकां इजेसांव मारून तेंगेली हळशीक बंद कर.

शौकीन : तेंकां वयर काडचे पडटले.

कांसुलो : वयर कित्याक काडपाक जाय? हांगासल्ल्यान व्हदळ माल्लेलें तशें इंजेसांव मारून बरे कर.

शौकीन : ना. ना. केस सिरीयस. असल्या इंजेसांवांनी ती हागवण बंद जावपाची ना. तांकां फटल्यान ऑपरेशनां करून तांचीं फाटलीं धांवां बंद करचीं पडटलीं.

कांसुलो : तशें कर. हांव तुकां दुपेटीन फारीक करपी.

शौकीन : तें मागीरचें मागीर. आतां म्हाका पायता न्हय?

कांसुलो : पायतां. पूण मातसो राव. पयलूंच म्हाका मनीस उणे पडटात.

शौकीन : मनीस उणे पडटात? कित्याक? हो आनी एक फार्मासवालो हाडला न्हय रे?

कांसुलो : हो तसलो कोण न्हू. हो मास्तर.

शौकीन : मास्तर? ताका आनीक कित्याक हाडला?

कांसुलो : शिकोवपाक.

(मनशाच्या तोंडावयलो लेंस सोडटा. हो रंगनाथ मास्तर. पिराय 40-45. पेंट-शर्ट असो भेस. तो काचाबूल जाला. कल्पना कितें चल्लां ताचो अदमास घेता. ताका दिसता, मास्तराक आपलेच खातीर हाडला.)

कांसुलो : मास्तर, दोतोरान आपलें काम बेस बरें केलें. आतां तूं तुजें काम सुरू कर.

रंगनाथ : म्हजें कसलें काम?

कांसुलो : दुसरें आनीक कसलें काम जमता तर तुकां?

रंगनाथ : पूण म्हाका हांगा उबारून कित्याक हाडला? हांव कितें थंय हायर सेकंडरींत बेकार नासलों.

कांसुलो : खबर आसा म्हाका. तूं चेडवांमदीं आशिल्लो.

रंगनाथ : चेडवांमदीं म्हणजे? आरे अनाड्या, (याद जावन) कांसुलो न्हय तूं? आरे, हांव त्या चलयांचो एक्स्ट्रा क्लास घेतालों. तुवें उबाल्लो, माल्ली खांदार पोटली, कितें समजलो तूं? मनशाक म्हणून अशें उबारतात?

शौकीन : हय. अशेच उबारतात. सगळ्यांक अशेच उबारून हाडल्यात.

रंगनाथ : तूं कोण?

शौकीन : हांव डॉक्टर शौकीन. हें मिस कल्पना. ह्या कल्पनाक घुंवळ आयिल्ली. ताका हांवें बरें केलां. तुवें ताका आतां शिकोवपाचें.

कल्पना : म्हाका शिकोवपाचें? हांव कितें अशिक्षीत अनाडी आसा काय कितें? आनी हांव ह्या रंगनाथ मास्तराकडसून शिकून घेवपी न्हय. ताचेच खातीर हांवें इश्कोल सोडिल्लें.

रंगनाथ : तेंच तूं कल्पना? म्हजो एक्स्ट्रा क्लास सोडून गेल्लें तें?

कल्पना : एक्स्ट्रा क्लास खंयचो? तुमचेखातीर इश्कोलूच सोडलें हांवें.

रंगनाथ : हय गो पूण एक चिमटो काडल्यार तुवें इश्कोल सोडपाक जाय? तुकांच इतलो दुखलो चिमटो?

कल्पना : दुखता सगळ्यांकूच, पूण भंयान सगळीं सोसून घेतात.

कांसुलो : त्या शाळांनी असलेंय काम करता तुमी? तेचेपरस म्हाजेसारखे कांसव कित्याक धरीना?

कल्पना : तुका सांगतां कांसुल्या, ह्या दोतोराक हाडून म्हाका तपासलें, इंजेक्शन केलें ते बरें आसा पूण हांव ह्या रंगनाथ मास्तराकडल्यान शिकून घेवपी न्हय.

शौकीन : रंगनाथ मास्तर, भुरग्यांक चिमटो काडीनासताना आनी हात लायनासताना अशें वयलेवयर हवेंतल्यान शिकोवपाक जायना तुजेकडेन? हांव इंजेक्शनां पासून तशींच करतां. न्हय रे कांसुल्या?

कांसुलो : (शौकीनाक) तुका शीताफुडें मीठ खावपाक कोणें सांगलें?

शौकीन : म्हणजे?

कांसुलो : म्हणगे ह्या मास्तराक तेका शिकोंक हाडला म्हणून तुकां कोणें सांगलें?

शौकीन : तुवेंच सांगलें न्हय रे?

कल्पना : कांसुल्या, म्हाका उबारून हाडून म्हजी विटंबना केल्या ती केल्या, आतां दोतोराक हाडून तपास, मास्तराक हाडून शिकय अशी म्हजी वयल्यान आनीक विदर्णा कित्याक करता? म्हजेकडेन लग्नच जावपाचो आसल्यार जा एकदांचो, पूण ही विदर्णा थांबय.

कांसुलो : (उमेदीन) खरेंच? पूण नाकां. तुमी म्हाका खूब हिणसयलो. शिकों नासलेलो बोणेर, अनाडी, अक्षरशत्रू अशा उतरांनी म्हाजी पूजा बांदली. तुयें कपी, तुयें म्हाका चड किंकोंत केलो. तुजींच उतरां म्हाज्या काळजाक गरो कशीं तोपलीं. हांव शिकोंना हें खरें. केन्ना आनी खंय शिकपाचें हेंवूय खबर नासलें. म्हाका आवय याद ना. बापूय याद ना. हें घर म्हाजें

काय कोणाचें तेंवूय खबर ना. कळत पासून कांसवाच्या फाटल्यान धांवपाचें इतलेंच याद आसा. शिक्षण म्हणोन कितें तेंवूय नकळो. म्हाका फक्त कांसव धरपाक कयटा. कांसवाच्या बदल्यांत गरज त्यो वस्तू हाडपाक कयटा. दोन कांसव धल्ल्यार एक हे बांयंत वडोवचो इतलें म्हाका कयटा. कांसवांची पिलां मारून खायनासताना तळ्यांत सोडपाचीं इतलेंच हांव जाणां. पूण मनशाक इतलें गिन्यान पुरी पडना हें म्हाका आतां समगलां. मनशाक लगीन जातलो जाल्यार आनीस गिन्यान जायें. रंगनाथ मास्तर, म्हाका लगीन जावपाचो आसा. ते आदीं म्हाका शिकय. बोणो आसा तो शाणो कर. अनाडी आसा तो बुदवंत कर. घे, कर सुरू. (व्हदळ हाडिल्लीं तीं पुस्तकां आनी नेमाळीं ताचेकडेन दिता. कल्पनाक, शौकीनाक आनी रंगनाथाक हांसचें काय रडचें तेंच कळना.)

रंगनाथ : (परिस्थितीचो अदमास घेयत) हें पळय कांसुल्या, तुजो उद्देश म्हाका समजलो, आनी तुजो उद्देश शुद्ध म्हणजे नितळ आसा. तुकां गिन्यान जोडपाची आस लागल्या हें बऱ्याचें लक्षण. आनी ते खातीर तुवें म्हजी निवड केली हें हांव म्हजें भाग्य समजतां. पूण म्हाका एक सांग, तुवें म्हाका व्हदळ म्हणलें ना, आपणांक लग्न जावपाचें आसा, ताचेआदीं म्हाका शिकय. म्हाका सांग, लग्न केन्ना म्हणजे खंयच्या म्हयन्यांत थरलां? तेप्रमाण शिकोवपाचें एक वेळापत्रक करचें पडलें ना?

कांसुलो : ह्याच म्हयन्यांत.

रंगनाथ : ह्याच म्हयन्यांत? केन्ना?

कांसुलो : आयचे आयज जावपाक जायें. हांयें सगळी तयारी करून दवल्ल्या. उल्लेली हांव रोखडीच करतलों.

रंगनाथ : म्हणजे आयज तुजेर लग्नाचो बोवाळूय आसा. आनी इतलें आसताना हांवें तुका शिकोवपाक जाय. शाणो करपाक जाय. न्हय?

कांसुलो : हें म्हजे अस्वडीं करपाक जायत?

रंगनाथ : तुजे अस्वडीं?

शौकीन : (मास्तराक) शक्य आसा. रंगनाथ मास्तर, तुमचे कॉलीजींत शिकनासताना भुरगीं पास जायना? लॅक्चर अटेंड करीनासताना डिग्रयो मेळना? मागीर कांसुल्याक अशी एखादी शाणो, बुदवंत अशी पदवी कित्याक मेळूं नये?

रंगनाथ : डॉक्टर शौकीन, तुमकां दोतोरकेची पदवी अशीच मेळ्ळ्या काय कितें?

कल्पना : अशीच मेळ्ळ्या आसूंक जाय. नाजाल्यार हवेंत इंजेक्शन करून पेशंटाक बरो करपाचें कसब तांकां कशें सादतलें आसले?

कांसुलो : म्हाका दिसता, गजालीनी तुमी म्हाजो येळ व्हगडायता.

रंगनाथ : ना. ना कांसुल्या, तुज्या वेळाचें म्हत्व आमकां खबर आसा. म्हणजे म्हाका तरी नक्कीच आसा. आनी हांव रंगनाथ मास्तर म्हणटा तो कामाचो मनीस. न्हय गो कल्पना?

कल्पना : हय, कामाचोच मनीस. कामातूर!

कांसुलो : म्हणगे कितें?

रंगनाथ : (विशय टाळीत) कांसुल्या, तें तुकां नाका. तूं हांगासर लक्ष दी. (पुस्तकां चाळीत) वा! म्हाका हाडलो तो हाडलो. वांगडाच हीं पुस्तकां हाडलीं. कांसुल्या, हीं शिकपाकूच हाडल्यां मरे?

कांसुलो : नातर कित्याक, कांसव बांदपाक?

रंगनाथ : वा! हीं खंय मेळ्ळीं तुकां?

कांसुलो : रस्त्याचे कडेक मांडून दवरता थंयच्यान हाडलीं.

रंगनाथ : फुकट?

कांसुलो : ना, मागीर फारीक करतलों तेका.

शौकीन : आयज सगळी उदारीच दिसता!

कांसुलो : हांव कोणाचें फुकट खायना. आयज नातर फाल्यां फारीक करतां.

रंगनाथ : (पुस्तकांची नांवां वाचता.) गुलबकावली, सिनेमा संगीत, पांडवप्रताप, कामसूत्र, मारूतीस्तोत्र, आरतीसंग्रह, मुलामुलींचीं शंभर नांवे, वा! वा! कांसुल्या, कितें तुजी निवड? तुकां लागत

तितलींय सगळीं गरजेचीं पुस्तकां हाडल्यांत तुवें. आतां तुकां शिकोवचोच पडलो ना?

शौकीन : सारखो रितीन शिकयता जाल्यार गणेसपुजा दवरून शिकयल्यार बरें न्हय? कितें मिस कल्पना?

रंगनाथ : नाका. गणेसपुजेक नाल्लावाट्याचो तो एक कांसवूच मुखार दवरीत.

कांसुलो : हांव पयलूं कितें करूं? तूं हीं सगळीं पुस्तकां म्हाका वाचपाक शिकयतलो?

रंगनाथ : वाचपाक? गरज ना. तीं अशीं वयल्यावयर चाळ्यार जालीं. (एक पुस्तक दोळ्यामुखार दवरून फराफरा करून दाखयता.) हें अशें. वाचूनय जालें. वारेंय जालें. हें अशें गिन्यानाचें वारें नाका-तोंडांत आनी दोळ्यांत कानांत गेल्यार जालें. कांसुल्या, सारखें आयकून घे. हांव आतां तुजी परीक्षा घेतां.

कांसुलो : पूण म्हाका बरोवपाक खंय कयटा?

रंगनाथ : बरोवपाची गरज ना. फक्त तोंडी परीक्षा. तोंडी परीक्षा कशी घेवपाची ते आमी तिगांय थारायतां.

कल्पना : हांव ना तुमचेमर्दी. वता थंय कांसुल्याचीं फकाणां. म्हजो बापूय आनी... ताचो भाचो बाळा हवालदार ताचीं अशींच फकाणां मारतालो. पूण सांगून दवरतां, तो तुमकां बदपाचो ना.

रंगनाथ : कल्पना, तूं सारखें आयकून घे. कांसुल्याक अनाडी, बोणो, अशिक्षीत, अक्षरशत्रू अशें तुमीच म्हणलां. तुमी ताका उणाक लेखला म्हणटकूच तो शाणो काय पिसो हें पारखुपाक नाका?

कांसुलो : आड्डीया (आयडीया) बरी आसा.

रंगनाथ : पळय, म्हजी आड्डीया कांसुल्याक लेगीत मानवली. कांसुलो कितल्या पाणयांत उबो आसा हाचो अदमास आतां तुमकां येतलो.

कांसुलो : कितल्याय खोल पाणयांत उबो रावपाक हांव तयार आसां.

रंगनाथ : शाब्बास! कांसुल्या, आमी तुजे परीक्षेचे तयारेक लागतां. तो

म्हणसर तूं, हांवें दाखयल्यां तशीं ही पुस्तकां वाचून काड. शिकपी भुरगीं सगळ्याक अशेच तरेन पुस्तकां वाचतात.

(कांसुलो तशेतरेन एक एक पुस्तक चाळटा. मदीं मदीं एखादें चित्र पळोवन थारता. मागीर परत बेगीबेगीन चाळटा. दुसरेवटेन रंगनाथ, कल्पनांक आनी शौकीनांक कितें कितें सांगता. शौकीन मोटे उमेदीन जाल्यार कल्पना मन मारून तांचे कबलातींत सामील जाता.)

रंगनाथ : तर कांसुल्या, तयार! तुजी सगळीं पुस्तकां शिकून जालीं. आतां तुजे परीक्षेचो दीस उजवाडलो. सकाळीं उठ, न्हा-धू. देवाक नमस्कार कर. कॉलेजींत वचपाक तयार. झूंऽऽ कॉलेजींत पावलो. परीक्षेक तयार. (कांसुलो तेप्रमाण अभिनय करता आनी तयार जावन रावता. रंगनाथ मास्तर प्रश्न विचारपाचे तयारेंत)

रंगनाथ : कांसुल्या, तुजेबराबर आनीक दोग जाणां परीक्षेक आसात.

कांसुलो : कोण? आनी तीं कित्याक?

रंगनाथ : हो डॉक्टर शौकीन आनी हें मिस कल्पना. हीं परीक्षेक बसल्यांत खरीं पूण तीं पास जावपाक न्हय.

कांसुलो : नपास जावपाक?

रंगनाथ : बरोबर. तुमच्या तिगांयमदीं कोण हुशार आसा तेंवूय कळटलें.

कांसुलो : कळोनी.

रंगनाथ : तर हांव प्रश्न विचारतां. विशय आसा - टर्टोलोजी म्हणते कांसवशास्त्र. सगळे प्रशअन कांसवासंबंदानूच आसतले. (कांसुलो खूश जाता पार्श्वभागाचेर सवाल-जवाब कार्यावळीक सोबसारखें संगीत, टीवी. कार्यावळीचे पद्धतीचें.)

प्रश्न पयलो - एका देवान धा अवतार घेतलेले. तातूंतलो एक अवतार कुर्मावतार. त्या अवतारांत ताणे धर्तरी आपणाले फाटीर घेतली. जाल्यार अवतार घेवपी त्या देवाचें नांव

कितें?

(शौकीनाक विचारता. तो बळयां चुकिची जाप दिता.)

शौकीन : गणपती, ना. म्हादेव, ना, ब्रह्मदेव, ना राम!

रंगनाथ : मिस कल्पना,

कल्पना : (रागान) रावण!

रंगनाथ : (विचारीत) कांसुलो!

कांसुलो : ईश्णू!

रंगनाथ : विष्णू कांसुल्याक वीस मार्क. डॉ. शौकीन आनी मिस कल्पना हांकां शून्य मार्क. प्रश्न दुसरो (परत संगीत)– एक बरो मोटो तुपो कांसव सक्काळीफुडें फोंडें सावन पणजे वचपाक भायर सरलो जाल्यार सांजमेरेन तो खंय पावतलो? (पयलीं शौकीनाक, कल्पनाक आनी मागीर कांसुल्याक विचारता.)

शौकीन : फर्मागुडयेर, ना, म्हाइडोळा, ना, बाणस्तारी.

कल्पना : (रागान) फातर्प्यां!

कांसुलो : कुयण्यां! म्हणगे वाटेर तेका फोंडेकार धरतले आनी कुयण्यांत घालून शाकोती करून खातले. तुप्या कांसवाक कोण सोडपाक येयला!

रंगनाथ : बरोबर. कांसुलो दुसरोय प्रश्न जिखलो. कांसुल्याक आनीक वीस मार्क मेळून चाळीस मार्क जाले.

कांसुलो : दोन इसो जाले.

रंगनाथ : बरोबर. आतां तिसरो प्रश्न - (संगीत) हांवें पांच कांसव धरले, समजा– तातूंतले तीन कांसव हांवें हांगा अशे दवरले आनी तातूंतले दोन कांसव घेवन हांव भायर विकपाक गेलों. एका वराभरयान हावें दोनूय कांसव विकून हांव परत आयलों जाल्यार म्हजेकडेन हे सुवातेर एकूण कितले कांसव उरले?

शौकीन : तीन! आतां मात म्हजी जाप बरोबर.

कल्पना : (आदल्या रागान) धा!

कांसुलो : एक्कूय ना. तूं तीन कांसव हांगा दवरून गेलो म्हणून वरभर

बसून रावपाक ते कितें शेणाचे थांपे?

रंगनाथ : बरोबर. कांसुल्यान आनीक एक इसो गूण मेळयले. आतां ताचे गूण तीन इसो जाले. आतां फुडलो प्रश्न – जाका येता ताणें हात वयर करपाचो.

(कांसुलो एकलोच हात वयर करता.)

प्रश्न कांसुल्याकूच. कांसुल्यान कांसवाभशेन उदकांत पेंवून दाखोवपाचें आनी जमनीर चलून दाखोवपाचें. (संगीत)

(कांसुलो खूश जाता आनी उदकांत पेंविल्लेभशेन करता तशेंच जमनीर कांसवाभशेन चलून दाखयता)

रंगनाथ : शाब्बास! कांसुल्यान चार इसो गूण मेळयले. शंबरांखातीर ताका फक्त एक इसो गुणांची गरज आसा. आतां निमाणो प्रश्न, थेट कांसुल्याक – कांसुल्या, तयार? (संगीत) खंयचेंय कांसवाचें गीत म्हणून दाखोवपाचें.

(कांसुलो गावन आनी नाचत म्हणटा)

कुटू कुटू कांसव वाट चाले
तेचे फाटीर धर्तर गोल डोले

कुटू कुटू कांसवा वाट सोंपना
संवसार सायबा आटापना

कांसवाची पोटली बांदली पोंवलेंत
कांसवाक काडलो घातलो तोवलेंत

मसालो वांट्टा कुटूकुटू
कांसव तोवलेंत खुटूखुटू

फोडून तोवली गेलो पळोन
मसालो सगळो गेलो व्हळोन

रंगनाथ : शाब्बास! कांसुलो जिखलो. शंबरापैकीं शंबर गुण मेळोवन पास जालो आनी ते खातीर ताका 'कुर्मशी बुदवंत' ही पदवी हांव जाहीर करतां.

कांसुलो : (उमेदीन) काळे-गोरे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो! (उड्णां मारीत हांगा थंय नाचता आनी भितर वता.)

कल्पना : तुमी ताका पिसो करपाचें येवजिलां?

रंगनाथ : जो मुदलाकूच पिसो ताका आनीक पिसो कितें करतले?

कल्पना : पूण तुमी येवजिता तशें जावचें ना. तो तुमकां बदचो ना.

शौकीन : पूण मिस कल्पना, तुकां ताचो इतलो किंवाटो कित्याक? तो तुजेकडेन लग्न जातलो म्हणून?

कल्पना : तुमची तशीच इत्सा दिसता.

रंगनाथ : निखालस ना. आमी आसताना तूं कांसुल्याचे भकीक पडचें अशें आमकां केन्नाच दिसचें ना. कितें शौकीन?

शौकीन : बरोबर.

कल्पना : तुमी बरे हुशार आसात. हुशारूच न्हय, चलाख लेगीत. तुमी दोगांयनी हर तरांनी कांसुल्याक फुलां माळून ताका खूश केला. आतां खंयच्च्याय खिणांक तुमी ताच्या चपक्यांतल्यान सुटपाक शकतात. म्हजो मात मर्णकाळ.

रंगनाथ : तूं आमकां सामील जा.

कल्पना : नाका. (शौकीनाक) व्हदळ आमी हुंवारांत सांपडिल्ल्यो दोन कळश्यो आसलीं. आतां तीन जाल्यांत. पूण हांव मात मातयेचेंच उरलां.

(रंगनाथाक ताच्या उलोवण्याचो अर्थ कळूं ना. शौकीन ताका फाटलो संदर्भ दिवन समजायता. इतल्यान भितरसावन कांसुलो येता. ताच्या हातांत होंकलेचीं नवीं न्हेसणां आसात. तीं तो कल्पनाकडेन दिता.)

कांसुलो : घे. हीं नवे होंकलेचीं न्हेसणां.

कल्पना : कोणांक?

कांसुलो : आनी कोणांक? तुकां. तूं न्हेसून तयार राव. हांव रोकडो येतां. समगलें?

(शौकीन आनी रंगनाथ ताका हयकार दी म्हण कुरवो करता पूण तें मनार घेना.)

कल्पना : हांव तीं न्हेसचें ना.

कांसुलो : मागीर लग्नांक अशेंच उबें रावतलें?

कल्पना : हांव तुजेकडेन लग्न जातलें म्हण तुकां कोणें सांगलें?

कांसुलो : (रागान) तुज्या बापायन!

कल्पना : (हातांत घेवन) हांव हीं शेवटून बांयंत वडयतलें.

कांसुलो : (दटायत) वडोवन पळय. फोटाफाट तुजी पोटली भितूर पडटली. तूं तयार जा. हांव रोकडो येतां. समगलें?

शौकीन : कांसुल्या, लग्न जावचेआदीं पयल्यान पयलीं खंय वता?

कांसुलो : म्हाजेपरस लग्नाची चड ताकतीक तुमकांच लागल्या मरे. हांव कपीचे इत्सेपरमाणे लगीन जातलों. तेका हांव शिकलेलो जाय आसलों तशेंच तेका भटा ब्राह्मणामुखार लगीन लागपाक जाय. तशेंच जातलें. आनी (शौकीन – रंगनाथाक) तुमकां येन्ना वयपाक मेळपा ना. आदींच म्हाका मनीस उणे पडटात. (कल्पनाक पळयत) लेगीन धा जाणांमुखार लागपाक जाय, न्हू?

रंगनाथ : हय, हय. आमी दोगजाण आसात. आनी लग्नाचे लाडू खाल्लेबगर आमी कशेच वचनात.

शौकीन : तूं कोणांक घेवन येवपाचो तो घेवन यो.

कांसुलो : कपी, हायें सांगलां तशें! न्हेसोन तरी पळय, तूं कितलें सुंदर दिसता तें!

(शौकीन आनी रंगनाथ ताका, 'न्हेसतां म्हण कांसुल्याक सांग' म्हणपाचो फोर्स करतात. पूण कल्पना वगीच रावता. कांसुलो ताकतिकेन भायर वता. वतना आदलेवरीच भायल्यान खिळी घालता.)

कल्पना : तुमी म्हाका सामकेंच ताच्या तोंडांत दिवपाचें येवजिलां? हीं न्हेसून हांव सव्यार चडूं? म्हणजे बोकडी जावन बळी वचूं?

रंगनाथ : तूं आमकां सामील जा. तातूंतच तुजें हीत आसा. न्हय, आमचे तिगांयचे हीत आसा.

कल्पना : कशें?

रंगनाथ : तें इतले पयस रावू कशें सांगूंक जातलें? लागीं यो.
(कल्पना दबकत दबकत तांच्या म्हऱ्यांत येता. दोगूय ताका कितें कितें सांगता. तें नाइलाजान आयकून घेता.)

कल्पना : म्हणजे पयलीं हीं न्हेसून हांवें होंकल जावपाचें?

रंगनाथ : हय. पूण तूं ताची होंकल जावचें ना हाची आमी काळजी घेतले. कितें शौकीन?

शौकीन : बरोबर.

रंगनाथ : (कल्पनाक) चल, तो कांसुलो खरो पूण सोंशाचे गतीन वतलो आनी हरणाचे चालीन येतलो..

कल्पना : (नाइलाजान तयार जाता.) पूण म्हाका एकल्याक तागेल्या घरांत वचपाक भिरांत दिसता.

शौकीन : चल, हांव येतां बरोबर.

कल्पना : नाका, नाका. हांव एकलेंच वतां. मातयेची मडकी!
(कपडे घेवन तशेंच भितर वता.)

शौकीन : हो कांसुलो बेताळाभशेन आतां नक्कीच खंयच्यातरी भटाची पोटली खांदार मारून हाडटलो.

रंगनाथ : हाडूं. आमकां कितें? आमची सोडणूक जाली म्हणटकच जालें. (हांगा-थंय पळयत) भायर वचपाक खंयच वाट ना. दारूय भायल्यान बंद केलां. हें घर गांवापासून कितलें पयस आसा?

शौकीन : म्हाका खबर ना. म्हाका हाडटना कांसुल्यान म्हजे दोळे घट्ट बांदिल्ले.

रंगनाथ : आनी म्हज्या दोळ्यांक कितें ताणें गॉगल लायिल्लें? म्हजीय

गत तशीच, हें कितें?

शौकीन : बांय. कांसुलो हेच बांयची खबर करता. बांयत खूब कांसव आसात.

रंगनाथ : (पळयत) आवयस! खूब म्हणल्यार राशिनी.

शौकीन : (राजू दाखोवन) बांयंत देवपाची वेवस्थाय बरी आसा.

रंगनाथ : (विचार करून) हे वेवस्थेची अवस्थाय करूं येता.

शौकीन : कशी?

(रंगनाथ ताच्या कानांत सांगता. तो मान हालयता.)

शौकीन : ही बांय म्हणल्यार कांसुल्याची कांसवांची बँक आसतली.

रंगनाथ : हे बँकेच्या खुस्तार तो उड्णां मारता.

शौकीन : आतां बुडटलो.

रंगनाथ : कसो?

शौकीन : हांव ताका सुखात्सुखी सोडटां काय कितें? असो उबारून हाडटा म्हणजे कितें? कोण हो? हांगासरलो मातसो सुटूं दी. थेट पुलीस स्टेशनाचेर वचून इन्स्पेक्टर कश्यपाक मेळटां. तो हाचें कट्टें सोलून काडटलो.

रंगनाथ : हांवूय तशेंच करपी. पूण ताचेआदीं हांव वेगळेंच येवजितालो.

शौकीन : कितें तें?

रंगनाथ : म्हणजे धार्जणें आसल्यार ह्या खदूळ उदकांतूय गरोवं येता.

शौकीन : कसली गरवणेची भास उलयता? तसो हांव फॅशन म्हण फॉरेन गरी घेवन मानशेर बसतां. पूण हांगा खंय गरोवपाचें? बांयंत? कांसव काडूंक?

रंगनाथ : कांसव कित्याक? मुड्डोशी!

शौकीन : (भितरली जाग घेयत) ताचें न्हेसून जालां आसतलें म्हणटा तूं?

रंगनाथ : तुकां इतली ताकतीक आनी उमळशीक कित्याक?

शौकीन : ताका आमचो बेत सांगपाक नाका? तो, कांसुलो येवपाचो

जालो. (थोड्या वेळान) हांव पळोवन येवं?

रंगनाथ : कोणाक?

शौकीन : अं. कांसुल्याक.

रंगनाथ : खंय? भायर काय भितर?

शौकीन : (भानार येत) भितर कित्याक? भायर.

(मुद्दाम भायल्या काराकडेन वता. पूण लक्ष भितर आसा. इतल्यान कांसुल्याचो पयसुल्ल्यान आवाज - "काळे-गोरे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो!" शौकीन भिता आनी आसा तसो आपले सुवातेर येता. भायरसावन कांसुलो येता. ताच्या हातांत फुलांच्यो दोन माळो आसात. ताणे फाटकुळेर मारून एका मनशाक हाडला. हो भटजी - भरणेश्वर. पिराय 60-65 वर्सां. पुडवें, खोमीस, उपरणें असो भेस. ताच्या दोळ्यांक लेंस बांदला. शौकीन आनी रंगनाथ ताका कांसुल्याचे फाटीवयल्यान देंवयतात.)

कांसुलो : हो भट. हेका हांगा दवरतां. ह्यो माळो. ह्यो भितर दवरतां. आनी हांव फुडले तयारेक लागतां. (ताकतिकेन माळो घेवन भितर वता.)

(शौकीन आनी रंगनाथ ताच्या दोळ्यांवयलो लेंस सोडटात. भरणेश्वर खूंट कसो उबो आसा. ताका खरस मारता.)

शौकीन : आरे, हो तर आमचो भरणेश्वर. तूं हाका वळखना?

रंगनाथ : हाका कोण वळखना? हे पंचक्रोशींतलीं सगळीं लग्नां होच लायता. म्हजेंय लग्न हाणेंच लायिल्लें.

शौकीन : पाड पडू! हाणें लायिल्लें लग्न कशेंच मोडना खंय! म्हजेंय हाणेंच लायिल्लें.

रंगनाथ : कांसुल्यान बरो योग्य त्या भटजीक हाडलो.

शौकीन : भरणेश्वर, तुमी कांसुल्याक खंय सांपडले?

रंगनाथ : आनीक खंय? खंयच्या तरी लग्नाच्या माटवांत आसतले.

शौकीन : पूण हो असो कितें? हालना-धोलना तसो उलयना. फक्त

वॉशींग मशीना भशेन सोंशेता.

रंगनाथ : ताच्या मनाविरुद्ध ताका उबारून हाडला म्हणून रागार जाला आसतलो.

शौकीन : तसो रागार जावन उपेग कितें? हांगा कोण आपणाले इत्सेन आयला? (उलो मारून) भरणेश्वरऽऽ जागे जायात. पावले, पावले.

भरणे : (भानार येत) अं, मी कोठें हाय?

शौकीन : येथें, येथें कांसुल्याकडें.

भरणे : कांसुलो? आरे, तो रांडेचा मज आफुडला बी नाय मरे?

रंगनाथ : ना, ना. तुमी ताचे फाटीर अचळय बसून आयल्यात.

भरणे : अशें?

शौकीन : भरणेश्वर, तुमकां घुंवळ आयली?

भरणे : घुंवळ? होय रे. डोकेंच गरगरव्या लागलें. तें दोळ्यांर बांदिल्लें तें नाकार आलें.

शौकीन : घुस्पटले दिसता.

भरणे : हो. तो वास कसाच सोंसना जाला. घुस्पटलों खरा.

शौकीन : भरणेश्वर, घुस्पटचे ना जाल्यार कितें? हो कांसुलो ज्या लेंसान कांसव बांदता त्याच लेंसान लोकांचे दोळे बांदता.

भरणे : कांसुल्या, तुजेर कसला सांवार आलाय? हे काय चालवलांय तूं? (गोंदळून) तुमच्या मदला कांसुलो कोण?

शौकीन : कोण न्हय, हांव डॉक्टर शौकीन आनी हे रंगनाथ मास्तर.

भरणे : मग कांसुलो?

रंगनाथ : तो तुमची पोटली हांगासर दवरून मुखावयले तयारेक भितर गेला.

भरणे : कसली मुखावयली तयारी?

रंगनाथ : तें कळटलेंच आतां.

भरणे : त्या कळण्यास लागली चुट्टी. त्या तेथें लग्न मंडपात मंगलाष्टकां अर्धींच उरलीं.

शौकीन : तीं आतां हांगासर पुरी करात.

भरणे : येथें? येथें काय लग्न हाय?

शौकीन : हय. भरणेश्वर लग्न आसा.

भरणे : कोणाचें?

शौकीन : कांसुल्याचें.

भरणे : कांसुल्याचें लग्न? लग्नाक एक नवरी लागता इतकां तरी म्हायत आसा मरे त्यास? कांसुल्याकडेन लग्न लावण्यापरस कोणय बाप आपले पोरीस पाण्यांत बुडवून मारणांर. खरें नव्हे?

रंगनाथ : खरें. म्हणून कांसुलो कोणा बापायचेर पातयेवन रावूना. ताणे बायलेक अशीच उबारून हाडल्या.

भरणे : तो असलेच धंदे करतो की काय?

शौकीन : ना, ना. हरशीं तो फक्त कांसव उबारपाचें काम करता. पूण हेच खेप गरजेखातीर ताणें हीं कामां केल्यांत.

भरणे : कोठलीं कामां?

शौकीन : हींच – तुमकां आमकां उबारून हाडपाचीं.

भरणे : म्हणजे तुम्हासपण उचलून आणलां? तुमचें एक ठीक हाय. मज म्हाताऱ्यास कशास ही पाठीवयली अमरनाथाची यात्रा? आनी त्यात मी दमेकरी. कोठें हाय तो कांसुलो? कांसुल्या, भायर ये अगोदर. सारखें म्हुर्तार लग्न लावतो तुजें, रांडेच्याचें. ये, भायर ये.

कांसुलो : (भायर येत) येयलों, येयलों भटमाम.
(कांसुलो न्हवऱ्याचो भेस करून आयला. कपलाक बाशींग आसा. त्या भेसांतूय तो कांसवासारखो सोबता.)

भरणे : (अजापान) राजवस्त्रां परीधान केल्यावर भिकारी सुद्धां राजा कसा शोभतो, तसा तूं कांसुल्या, ह्या वेशांत नवरा कसो शोभतो खरा, अणी रांडेच्या, बळजबरीने लग्न करव्या मुखार सरलाय मरे तूं? अणी असलें बळजबरीचे लग्न लावव्या मज आणलाय? मज काय खडी फोडाव्यास पाठवायचा बेत हाय

की काय तुजा?

कांसुलो : भटमाम, तुजेकडल्यान फुकट लगीन लावन घेयना. तुकां सारकें फारीक केलें म्हणटकच जालें ना?

भरणें : सारखें काय फारीक करणांर तूं? अणी दाम दुप्पट फारीक केलेंस म्हणून मी असलीं बेकायदेशीर कामां करणांर असें वाटतें तुज? आतां नवरी पळवून आणलीस तरी दोगांची संमंती असल्यास प्रश्न वेगळा. आजकाल तसें चालतें. आमच्या देवांनी सुद्धा हेंच केलें नव्हे? आतां लग्न करून मग तेर्म करव्या हरकत नाय.

कांसुलो : तुगेलो तो तेर्म बी मागीर सवकासायेन कर. पयलीं म्हाजे लगीन कर. तेबगर तुकां सुटका ना.

भरणे : (कपलार हात मारीत) जा, तुझ्या सौभाग्यकांक्षीणीस भायर घेवन ये.

कांसुलो : (रागान) कासंविणीक?

भरणे : सौभाग्यकांक्षी म्हणजे तुजे होंकलेक रे बाबा!

कांसुलो : ती भितूर आसा.

भरणे : मग काय मी आंत जावूं?

कांसुलो : (आडायत) नाका, नाका.

(इतल्यान भितरसावन कल्पना भायर येता. तें होंकलेभाशेन सजलां.)

कल्पना : कोण भितर येवपाची गरज ना. हांवूच भायर आयलें. कांसुल्या, काय बरें तुजें घर आसा. पूण घरांत सगळें अस्ताव्यस्त पडलां.

(कांसुलो ताका पळोवन खूश जाता. तें मात ताका न्हवऱ्याच्या भेसान पळोवन कांचवेता.)

कांसुलो : तूं जाग्यार घाल कपी. सगळें तूं जाग्यार घाल.

कल्पना : (कांचवेत) तूं लग्न जावपाक भायर सरून तयार जालो?

कांसुलो : आनी तूं जालें ना? हो पळय, लग्नाक भट पासून हाडून दवरला. तुकां जाय आसलो न्हू? आनी फुलांच्यो माळो पासून

हाडल्या.

(भरणेश्वरशास्त्री कल्पनांक पळोवपाचो यत्न करता. ताका सारखें दिसना.)

भरणे : वा कांसुल्या! नक्षत्रासारखी पोर वेंचून काढलीस रे. उचलून आणलीस ते उत्तम केलेस. नायतर इतली देखणी नवरी तुज आपण जावन कोण देणांर असता. ये पोरी, अशी जवळ ये. पयलीं मी तुज काळजांतल्यान आशिर्वाद देतों. (ताच्या लागीं वचपाचो यत्न करता. तें कडेक सरता.)

कल्पना : (ताका वळखता) पयसूच रावन आशिर्वाद दियात. हांगासर इंजेसांव पासून हावें अशें पयस रावून घेतलां आनी हांव सडसडीत बरें जालां. तुमचो थंयसावन दिल्लो आशिर्वाद म्हजें कल्याण करतलो. हांव कितें म्हणटां तें समजलें न्हय, भरणेश्वर?

भरणे : (अजापान) भरणेश्वर? अरे, ही पोरगी मज ओळखते?

कल्पना : बरें वळखतां. तुमची भाची श्यामला म्हजी इश्टीण. ताणे तुमचे सगळे पराक्रम सांगल्यात म्हाका. भाची भाची म्हणून तूं मामा ताची कशी कशी अपुरबाय करतालो तें सगळें खबर आसा म्हाका.

भरणे : गप राव सायबिणी. मुकाट्यान तुजें लग्न लावन टाकतों, पण माजें म्हातारपणांत नांव पिड्ड्यार करूं नको.

(ताका खरस येता.)

कल्पना : तुजेकडसून लग्न लावन घेवपाक हांव हारेलां काय कितें?

रंगनाथ : कांसुल्या, तुवें तुज्या लग्नाखातीर बरे वेंचून मनीस हाडल्यात. सगळे तुगेले होंकलेचे वळखिचे.

कांसुलो : हांयें तुमकां कोणांक येंचून बी कांय हाडूंना. मेयळ्या तेंकां उबाल्ल्या. हांयें येंचून काडलां तें फक्त कपी.

कल्पना : (रागान) तूं भंगलो म्हाका वेंचून काडटलो.

(कांसुल्याक वायट दिसता. तो खजील जावन बसता. रंगनाथ

मास्तर आनी शौकीन कल्पनाक कुरवांनीच खुणायता आनी कांसुल्याकडेन लग्न जावपाक तयार जा म्हण ताका फुसलायता. अखेरेक तें नाइलाजान तयार जाता. कांसुल्या म्हऱ्यांत वता. नाटक करता.)

कल्पना : कांसुल्या, तुकां राग आयलो? आरे, फकाणां केलीं तुजीं. हांव लग्नांक तयार आसां. नाजाल्यार तुवें इतले अपुरबायेन हाडलेलीं तीं न्हेसणां हांव कित्याक न्हेसतलें आसलें? पळय, कशें दिसता हांव तें पळय. तुका जाय तशेंच? हांव सोबता मरे तुकां? तूं न्हवरो म्हणून खूब बरो दिसता म्हण विचारतां. पयलीं तूं म्हाका आवडनाशिल्लो हें खरें, पूण आतां तूं म्हाका आवडपाक लागलो. म्हाका तुवें बळजबरीन उबाल्लें तें वायट केलें ना. नाजाल्यार त्या बापायच्या आनी बाळाच्या तोंडांत हांव पडटलें आसलें. तुवें थंयच्यान खरेंच म्हजी सुटका केली. म्हाका हांगा हाडलें तेंय बरें केलें. पूण म्हजे बरोबर ह्या असल्या मनशांक तुवें हांगा कित्याक हाडले? हो बायलांचो शौकीन, हो रंगढंगी रंगनाथ. तांचेपासून हांव पळून गेल्लें. घाणीपासून पयस गेल्लें. तुवें घाणूच हाडून परत म्हजेमुखार दवरली. आनी भटजींक कितें तुटपाण आसा? अखेर बळजबरीनूच हाडला न्हय तुवें भटाक. बरोसो शुद्ध ब्राह्मण हाडपाचो. लग्न म्हणटा तें पवित्र कार्य न्हय रे? आनी लग्न कितें परत परत ज़ातात? एकदांच जावपाचें न्हय तें?

(कल्पनाच्या उलोवण्यान रंगनाथ, शौकीन आनी भरणेश्वर अपमानीत जातात. कांसुलो खुलता.)

आतां जालें तें जालें. नकटीच्या लग्नांक शंबर विघ्नां! चल, आतां मुखावयले तयारेक लाग.

(शौकीन आनी रंगनाथ कल्पनाक खुणायता. बांय, कांसव, शाकोती अशें कुरवांनी सांगपाचो यत्न करता.) कांसुल्या, लग्नाचें व्हडलें न्हय. तें एका खिणांक जातलें. पूण ह्या इतल्या

जाणांक तुवें लग्नांक उबारून हाडल्यात. हांकां रित्या हातान धाडूंक जाता? तूं तांची बिदागी दितलो हें खबर आसा रे म्हाका, पूण तितल्यान ह्या अधाशांचें समादान जायत? हातांतलीं कामां थंयच वडोवन आयल्यात न्हय रे ते! तांकां एक जेवण तरी दिवपाक नाका?

कांसुलो : जेवण?

कल्पना : तूं कांचवेलो कित्याक?

कांसुलो : म्हाका रांदप्याक (उबारून) हाडचो पडटलो.

कल्पना : कांय गरज ना. हांव आसतना रांदपी कित्याक जाय?

कांसुलो : तशें जाल्यार शीत रोस कर. घरांत सगलें सामान आसा.

शौकीन : (रंगनाथाक) हो शीत रोस एक जावन दोणो भायर पडना मूं?

कल्पना : तुगेल्या शीत रोसाक हे बदता? शाकोती खाल्लेबगर हे हालपाचे नात.

कांसुलो : शाकोती? कसली?

कल्पना : आनीक कसली? कांसवांची. बांयंत इतले कांसव आसताना आनीक दुसरें कितें जाय? आनी तुगेले कांसव रांदून रांदून हांव तरबेज जालां.

रंगनाथ : म्हणजे लग्नाच्या निमतान आमकां कांसवाची शाकोती मेळटली. वा! कितें भरणेश्वर?

भरणे : काय? कासवाची शाकोती?

कांसुलो : हो भटमामूय खातलो?
(शौकीन आनी रंगनाथ ताका हय म्हणपाक फुसलायतात.)

भरणे : हां, हां. खाणार. कित्तेक जणांनी मज दम्यावर हाच उपाय सुचवला हाय. आतां उद्यां बघावें, परवा बघावें म्हणून थांबलो होतो. चला! एका निमित्ताने जेवणय जालें अणी अनायसें दम्यावर उपायय जाला. (बाकीच्यांक) कसें?

शौकीन : हय तर. शाकोती खावपाक इतलो बरो म्हूर्त दुसरो आनीक मेळपाक आयला?

कांसुलो : बरें आसा. बांयतल्या कांसवांची घालूंया बोब. लगीन जायनाफुडें जेवणावळीची तयारी करूंया.

कल्पना : कांसुल्या. तितलें सोपें न्हय तें. पयलीं तूं बांयत देंवून कांसव काड. मागीर लग्न जावंया.

कांसुलो : आतां बांयंत देवों?

रंगनाथ : देंविल्लो बरो न्हय?

भरणे : अणी अनायासें तुजी आंघोळ करूनय होणार?

कांसुलो : हांव सकाळींच न्हालां.

भरणे : पण मध्यें तूं कोणाकोणास आफुडला नव्हे? परत आंघोळ कराव्या हवी. लग्नकार्य शास्त्रशुद्ध पद्धतीने केलेलें बरें.

शौकीन : (थोमणो मारीत) लग्नाचे जेवणावळीक शाकोती म्हणटकूच शास्त्रशुद्धच जालें ना?

भरणे : त्यांत काय हाय? बंगालांत लग्नाच्या जेवणांत मासळी असतेच. यथेंच तो प्रकार नाय.

रंगनाथ : आमी कांसुल्याच्च्या लग्नापासून काय प्रथा सुरू करूंया. कितें कांसुल्या?

कांसुलो : (गोंदळत) आतां हांव पयलूं कितें करूं तें सांगात.

कल्पना : कांसुल्या, तांकां कितें विचारता? तांचो सल्लो विचारचे आदीं धा फावट विचार कर. हांव सांगतां तें आयक. बांयत देंव आनी पळय, कितले लागतले ते कांसव काड.

कांसुलो : तशेंच करतां.

शौकीन : कांसुल्या, तें बाशींग आनी कपडे घालून तसोच देंवतलो?

कांसुलो : काश्टी भिजयनासताना थिगूर धरपाची म्हाका संवंय आसा.

भरणे : अणी एकदां बांदलेलें बाशींग लग्न झाल्याशिवाय उतरायचें नसतें.

कांसुलो : (उमेदीन) काळे-गोरे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो! (कांसुलो बेगीबेगीन तयार जाता. दोरयेवयल्यान सकयल बांयंत देंवता.)

कल्पना : कांसुल्या, सांबाळून, पडशी बी. बेगीन वयर यो. मागीर म्हत्वाचीं कामां आसात.

(भितरसावन कांसुल्याचो आवाज वयर आयकूंक येता. कल्पना, रंगनाथ, शौकीन आनी भरणेश्वर तो बांयंत देंविल्याची खात्री करून घेतात. आनी ताकतीक करतात.)

रंगनाथ : चला. आतां ही दोरी कापून वडोवया.

शौकीन : कापून कित्याक? अशी सोडल्यार पुरो.

कल्पना : पूण कांसुलो खरेंच बुडून मरना मूं?

रंगनाथ : म्हणजे? तुकां तो जितो उरिल्लो जाय?

शौकीन : तुजी इत्सा अर्दकुटी उरली म्हणून?

रंगनाथ : सगळ्यांच्यो सगळ्यो इत्सा पुऱ्यो करूंया. पयलें हें काम करूंया.

(चौगांय दोरी सोडपाक वावुरतात म्हणल्यार शौकीन आनी रंगनाथ फुडाकार घेतात. भरणेश्वर आपलो जीव सांबाळीत जाल्यार कल्पना तांचेपासून चार हात पयस रावनूच तांकां मदत करता. एकदांची दोरी सुटटा आनी बांयंत घोऽऽ करून पडिल्ल्याचो आनी कांसुल्याचो किळांचीचो आवाज आयकूंक येता. कल्पनाक कल्ल जाता. पार्श्वभागाचेर शिर्शक गीताचीं उतरां आयकूंक येता.)

घेतलो घात कोणा काळान,
भुजांबळां गेलीं खळांन खोल काळजा तळांतल्यान,
कोणांक मारचो उलो कांसुलोऽऽ कांसुलोऽऽ

कल्पना : कांसुल्या!

रंगनाथ : उदकांत पडलो म्हणून तो मरपाचो ना. वयल्यान कितें मेळटा तें वडयात. पडूनी ताच्या माथ्यार, आंगार.

(तिगूय जाण हातांत मेळटा तें बांयंत वडयता. चिरे, फांतर, फळीं. कल्पनाय तांकां दिसपाक जाय म्हण हलक्यो हलक्यो वस्तू भितर वडयता. अकस्मात ताच्या हाताक एक कांब

लागता. हेच कांबीन ताणें कांसुल्याक मारिल्लो. ती कांब तें बांयंत वडोवपाक सोदता. पूण मागीर ताचे तकलेंत कितेंतरी विचार येता. ती कांब तें तांकां लिपोवन कडेक दवरता.)

शौकीन : तो आतां कसोच वांचपाक ना.

भरणे : आतां मंत्र सुद्धां मारल्यास तो जिवंत होणार नाय.

रंगनाथ : आरे, आयडीया कोणाची?

शौकीन : पूण सहकार्यूय तितलेंच म्हत्वाचें न्हय?

भरणे : हो तर. चौगांच्या सहकार्याशिवाय असलें कार्य होणे कठीण.

रंगनाथ : अखेर शिक्षणाचो म्हण कितें उपेग आसा काय ना? नाजाल्यार अनाडी कांसुलो आनी आमचेमदीं फरक तो कसलो?

कल्पना : तुमच्या शिक्षणाच्यो बडायो मागीर मारात.

रंगनाथ : बरें आसा. बडायो मागीर, ताचेआदीं कितें करूंया?

कल्पना : आनी कितें करपाची उमेद आसा तुमकां? तो मेलो जाल्यार (आपले भितर) मरना जाल्यार पुरो. (तांकां) तो मेलो जाल्यार खुनाचो आळ येवचो ना आमचेर? पयल्यान पयलीं हांगासल्लीं कडसरूंया. म्हाका वाट खबर ना. पूण तुमच्या आदाराची म्हाका गरज ना. हांव वचन एकलें.
(रंगनाथ, शौकीन आनी भरणेश्वर तिगूय एकमत जाल्यात.)

रंगनाथ : एकलें खंय वतलें? पयलीं ह्या घरांतलें भायर सरपाक जाय न्हय?

कल्पना : भायर सरपाक जाय म्हणजे? आतां म्हाका हांगा कोणें बांदून घातलां?

शौकीन : कोणें बादून घालूंना खरें, पूण हांगासावन वचपाची कोणें परवानगीय दिवं ना न्हय मिस कल्पना?

रंगनाथ : म्हणजे हांगासर हो (फाटली याद दिवन) 'बायलांचो डॉक्टर शौकीन' आसा तसोच हो (आपूण) 'रंगढंगी रंगनाथ' आनी हो 'शुद्ध ब्राह्मण' न्हय असो भरणेश्वर आसा. हांचेमदल्या

कोणांक तू हांगासल्लें गेल्लें जाय?

कल्पना : म्हणजे?

शौकीन : म्हणजे कितें? आमच्या मनांतलें पारखुपा इतलें तूं हुशार आसा. तुकां अर्दकुटेंच तपासलां न्हय. तें तपासप पुराय करूं नाका, ह्या बायलांच्या शौकीनांक?

रंगनाथ : आनी तुवें शाळा सोडली म्हण कितें जालें? शाळेंत आपयनासतानाय तुजेखातीर क्लास घेवं नजो ह्या रंगढंगी रंगनाथ मास्तरान?

भरणे : तुज लग्न करव्या शुद्ध ब्राह्मण हवा होता? आतां तुजी शुद्धी करतो बघ कशी!

कल्पना : तुमचो होच हेतू आशिल्लो म्हणून तुमी म्हाका तुमच्या कटांत सामील करून घेतलें? म्हणजे तुमी आजूनय तशेच आसात.

शौकीन : आमी तशेच आसात म्हणजे? तूं बदल्लां? तुंवूय तशेंच आसा, मर्यादखोर! फटकळ! सुबेज! परिस्थिती बदल्ली, पूण तुजो सभाव बदल्लो ना.

कल्पना : आनी बदलते परिस्थितींत तुमी तरी खंय बदलले? मेळिल्ले संदिचो फायदे घेवपाचो तुमचो सभाव तसोच उरलो. फाल्यां मरून तुमी नरकांत गेले तरी लेगीत तुमची वृत्ती बदलपाची ना. वयल्यान नरकांतले घाणीक तुमची ही लंपटवृत्ती फाटीं घालतली.

रंगनाथ : हांगा सर्ग उबो करपाची धमक आमचेमदीं आसतना तुगेल्या नरकाच्यो गजाली कित्याक? नरकांत पावला आसतलो तो, बांयंत बुडून मेला तो कांसुलो.

शौकीन : तुकाय वचपाचें आसल्यार तुज्यानूय थंय नरकांत ताच्या सांगाता वचूं येता. पूण पयलीं आमचेबराबर सर्गसुखाची गोडी चाखूनच वच.

कल्पना : शेण घालतां तुमच्या तोंडांत.

(तें भायर पळपाक सोदता. तिगूय जाण ताका आडायतात.)

भरणे : (कल्पनाक पळयत) हिच्यांत बदल झाला नाय अशें म्हणटा तुमी? ही काय बरी बदलल्या! किती थोराड जाली हाय.

कल्पना : तुमचे भाच्चेपरस चड?

भरणे : माझी भाची वर काडतेस रांडेचे. आतां तूं असताना मज भाच्चीचीं फकाणां कशास मारव्या हवीं? दाखवतों तुज ह्या मामाचा प्रताप! (खर्शेत खर्शेत तिचे फाटल्यान धांवता. कल्पना हांगा – थंय पळटा.)

रंगनाथ : मिस कल्पना, परिस्थितीचो अदमास घेवन तुवें आमचेकडेन बरेपणूय जोडूं येता. हांगा जोडिल्लें बरेपण ह्या घराभायर वतकूच तशेंच सांबाळून दवरूं येता.

कल्पना : तसलें हळशिकावणे बरेपण जोडचेपरस हांव हे बांयत जीव दियन.

शौकीन : तुकां मरपाचीच वान्सा आसल्यार आमी कितें करतले? पूण आमच्यो वासना थंडावनूच तुका मरचें पडटलें. (ताका धरपाचो यत्न करता.)

कल्पना : डॉक्टर शौकीन, लक्षांत दवर हो तुजो दवाखानो न्हय आनी हांव अकलेक आयिल्ली मिसेस एकोडे न्हय. रंगनाथ मास्तर, ही तुजी कॉलेज न्हय आनी हांव तुजी अज्ञानी विद्यार्थिनी न्हय, आनी भरणेश्वर, हांव तुमची मुखदुर्बळ शामला भाची न्हय. जाचे गंवटेक घांस मारून हांगासर रगताचो शिताडो घालचो अशें जाका दिसता, तो पयलीं म्हज्या आंगाक हात लायतलो. तुमी तिगूय, कोलसुणे जावन म्हाका खावपाक सोदतात. पूण हांव मेल्ले आवयचें दूद पियेवंक ना. कांसवाचीं कट्टी निखळटा तशी एक एकल्याची तकली फोडून वडयतलें.

शौकीन : (हांसत) आमची कट्टीं निखळायतलें?

रंगनाथ : (हांसत) भरणेश्वर, खूब वर्सांनी परत एक फावट हे भूंयेर महाभारत घडटलें.

भरणे : बरोबर! द्रौपदी वस्त्रहरण! (कल्पनाक) कर द्रौपदी, कृष्णाचा

धावा कर.

कल्पना : कृष्णाचो धावो करपाची म्हाका गरज ना. हांव हे भुंयेची दुर्गा. हांव म्हज्यांतले कालीक जागयतलीं.
(व्हदळ कुशीक काडून दवरिल्ली कांब हातांत घेता. न्हेसण वेवस्थीत खोवन घेता. दोनूय हांतांत धरून तरसादीभशेन कांब वावुडटा.)

कल्पना : आतां कोणांक मरपाचें आसा ते मुखार येतात.

भरणे : अरे, हा तर रणचंडिकेचा अवतार!
(तिगूयजाण कल्पनाक धरपाचो यत्न करतात. कल्पना तांकां बदना. वातावरण तंग. इतल्यान बांयतल्यान कांसुलो वयर येता.)

कांसुलो : काळे-गोरे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो!
(ताका पळोवन सगळीं अजापतात. कल्पनांक धीर येता. तें कांसुल्या म्हऱ्यांत धांवत वता. मागीर ताच्या लक्षांत येता. तें ल्हवूच आसा तशें कुशीक सरता.)

भरणे : अरे देवा! हा चांडाळ जीवंत हाय!

शौकीना : कांसुल्या, तूं जीतो आसा?

कांसुलो : मागीर कितें, म्हाजेच बांयंत हांव बुडोन मरों?

रंगनाथ : तूं वयर कसो आयलो? आनी हांगा कसो पावलो?

कांसुलो : म्हाजें घर, म्हाजी बांय. म्हाका जाय तशी हांयें ती बांदून काडल्या. तुमकां कितें दिसलें? तुमी म्हाका पिसो करतले आनी हांव पिसो जातलों? हांव तुमचेसारखीं पुस्तकां ना शिकों पूण तुमच्यासारख्या शिक्षणी मनशांपासून चार हात पयस रावपाक जाय म्हणपाचें म्हाका खबर आहा.

कल्पना : कांसुल्या, म्हज्या मनांत नासताना हाणी तिगांयनी म्हाका आपणाल्या कटांत सामील करून घेतलें. म्हजो साप नाईलाज जालो. म्हाका तुजेकडेन लग्न जावपाचें ना हें खरें. पूण तूं असो मेल्लो म्हाका नाका.

कांसुलो : म्हाका तुजें वांयट दिसों ना कपी. कारण हांयें तुकां वायट केलें तशें तूं म्हाका वायट करपात वावुरलें. (तिगांकूय) तुमचेंय म्हाका वायट दिसों ना. हांयें तुमचें वायट केलें, तुमी म्हाका मारपाची मांडणी काडली. चेपें काडटां हांव तुमचे मांडणेक. तुमी तशें करपाकूच फावो. हांवूय तेंच करपाचों. पूण म्हाका बांयंत वडयतकूच तुमी पळोन वयपाचे न्हू आपापल्या घरा? पूण तशें करीनासताना हांगा मौज करपाक रावले? हांव दाखयतां तुमकां मौजो! भटमाम, द्रौपदीच्या वस्त्रहरणा उपरांत म्हाभारतांत कसली घडणी आसा?

शौकीन : कांसुल्या, तूं आमकां खऱ्यांनीच मारतलो?

कांसुलो : हय, पूण असो हांगा न्हू. हांगा म्हाज्या घरांत म्हाका तुमच्या रगताचो शिताडो घालपाचो ना.

कल्पना : कांसुल्या, जिवानिशीं मारता कित्याक तांकां? भंय घाल आनी सोडून दी.

कांसुलो : तसल्यांनी सुदारतले ते? सांग, सुदरतले?

कल्पना : ना.

कांसुलो : म्हणटकूच तेंका मारपाकूच जाय. हांव तेंकां हे बांयंत बुडोवन मारतलों. जे बांयंत तेणी म्हाका मारपाचें येवजिल्लें तेच बांयंत तेंकां वडयतलों. तुजेर वायट नदर दवरिल्ल्या दर एकल्याक हांव हे बांयंत बुडोवन मारतलों. मास्तर, दोतोर, भटमाम अशे मुखार येयात.

भरणे : कांसुल्या, मज बुडोवन मारतोस मग तुमचें लग्न रे कोण लावणां?

कल्पना : असल्या पातकी ब्राह्मणाच्या हातांतल्यान लग्न जावन घेवचेपरस आंब्याच्या पानांच्यो माळो गळ्यांत घातलेल्यो बऱ्यो.

कांसुलो : (उमेदीन) खरेंच?

कल्पना : (भानार येत) म्हणजे शाण्या मनशान आपल्या लग्नाक असल्या ब्राह्मणाक हाडचो न्हय.

कांसुलो : चूक जाली म्हाजी. तेका बुडवनूच मारतां. भटमाम, दोतोर, मास्तर हांव तुमकां बांयंत धुकलून वडोवचे आदीं बांयंत कांसवाभशेन पटपटीत उडयो मारात आनी धमक आसल्यार हांव वयर येयलां तशे वयर येतात. नातर बुडून मरात. चलात. म्हाका मागीर मुखावयलीं कामां आहा. चल, पयलीं कोण मारता? भटमाम, तूं? काय दोतोर तूं? काय मास्तर तूं? तुमचेमदें पयलूं कोणें उडी मारपाची तें थरायात.

(ते एकमेकाक मुखार धुकलतात. इतल्यान कल्पना ते संदीचो लाव घेवन पळून वचपाक सोदता. तें दाराकडेन येवन ल्हवूच दाराची खिळी काडटा. कांसुल्याचें लक्ष ताचेकडेन वता.)

कांसुलो : कपी, हांव जाणां, तूं संदीचो लाव घेवन पळोन वयपाक सोदता. पूण पळोन खंय वयतलें? कांसवाक कसो तुकां परत धरून हाडटलों.

(तें थारता.)

भटमाम, मास्तर, दोतोर कितें थरलें?

(तांगेलें एकमत जावंना) तुमचें एकमत जायना जाल्यार तिगूयजाण वांगडाच उडयो मारात. चलात. (एकेवटेन नंबर मेजता जाल्यार दुसरे वटेन क्लपनाक धपकायता.)

(ते बांयचे धडेर चडटात.) एक – (कल्पना धपकायता.) कपी, (तांकां) दोन – (परत धपकायत.) कपीऽऽ (इतल्यान भायरसावन पुलीसांचे शिटयेचो आवाज आयकूंक येता. कांसुलो कांचवेता. तिगूय जाण खुशी जातात. तांकां पुलिस आयल्यात म्हणपाचें समजलां.)

कांसुलो : पिल्लूक कोणें वाजयली? तुमचेमदीं पिल्लूक कोणें वाजयली?

भरणे : श्रीकृष्णान!

शौकीन : भायर पुलीस आयल्यात.

कांसुलो : तेंकां कोणें आपयले हांगा?

रंगनाथ : ते आपयसर रावना. आनी तांकां खांदार मारून हाडचे पडनात.

शौकीन : इन्स्पेक्टर कश्यप आसल्यार पुरो.

कांसुलो : (धपकायत) तुमी बांयंत घालून घेता काय ना?

रंगनाथ : आतां पळोवया कोण घालून घेता तो.

(इतल्यान भायरसावन बेळजबरीन दार उक्तें करून इन्स्पेक्टर कश्यप, बाळा हवालदार आनी विनोमाम येतात. बाळाच्या हातांत दांडो जाल्यार कश्यपाच्या हातांत पिस्तोल आसा. तो जुवान इन्स्पेक्टर. पिस्तोल उबारूनच भितर सरता.)

इन्स्पेक्टर : खबरदार कोण जाग्यावयले हालशात जाल्यार. सगळ्या घराक पुलीसांचो गराडो आसा.

बाळा : इन्स्पेक्टर , होच तो कांसुलो. हाणेंच म्हजें होंकलेक उबारून हाडल्या. (हांगांथंय पळोवन) कांसुल्या, म्हजी होंकल खंय?

(कल्पना तोंड घुंवडावन आसा.)

इन्स्पेक्टर : ताका कितें विचारता? ही दिसना तुकां?

बाळा : ती होंकल खरी, पूण म्हजी न्हय. म्हजें कल्पना अशा भेसांत ना.

विनोमाम : हय इन्स्पेक्टरसायब, तें साद्या भेसांत आसा.

इन्स्पेक्टर : सारखें पळयात.

(बाळा आनी विनोमाम कल्पनाक मुखावयल्यान पळयतात. खोशी जातात.)

बाळा : हेंच म्हजें कल्पना. कल्पना, हांव आयलों, तुजी सुटका करपाक. आनी हीं, हीं न्हेसणां तुका कोणें न्हेसयलीं? ह्या कांसुल्यान? आब्बा! राव, दाखयतां तुकां.

विनोमाम : बाय, तूं तूं कशें आसा? तुजो कितलो हुस्को जालो! ह्या कांसुल्यान तुका त्रास दिलेना न्हय?

(कल्पना तांकां पळोवन तोंड घुंवडावन रावता.)

इन्स्पेक्टर : (तिगांकूय पळयत) तुमी थंय कितें करतात? पळूं वचपाक उबे रावल्यात? सकयल देंवात.
(तिगूय जाण सकयल देंवतात.)

भरणे : पळून कोठें जाणांर? बांयत!

शौकीन : तुमी जाग्यावयले हालूं नाकात अशी आज्ञा केली म्हण तशेच रावले.

रंगनाथ : आनी थोडो वेळ उरल्यार बांयंत पडपाचे.

इन्स्पेक्टर : थंय बांयचे धडेर कितें करताले? (वळखून) डॉ. शौकीन, मिस्टर रंगनाथ आनी भरणेश्वर, कितें करताले थंय?
(कांसुलो तांचेकडेन रागान पळयता.)

शौकीन : कांय ना. कांसव मेजताले. बांयतले कांसव.

इन्स्पेक्टर : बांयंत कांसव आसात?

रंगनाथ : हय इन्स्पेक्टर सायब.

बाळा : सायब, हावें सांगूंक नासलें, हो कांसुलो कांसवचोर म्हण?
(बांयंत पळयता.)

इन्स्पेक्टर : कांसुलो म्हणटा तो तूं? आयज केदो व्हडलो बोवाळ घातलो तुवें? सगळें पुलीस स्टेशन हालोवन वडयलें. मोटो हुशार मनीस तूं. ह्या इन्स्पेक्टर कश्यपाक शेळो घाम काडलो. कसल्या कसल्या चोरांक धरल्या हांवें. पूण तुवें बऱ्योच शिंको काडपाक लायल्यो. तुजे घर सोदतासर नाका पुरो जालें.

बाळा : सायब पळयात, बांयंत कितले कांसव आसात.
(कश्यप वचून बांयंत बागोवन पळयता.) सायब, 47 कलमाखाला कांसुल्याक धरून भितर वडोवया.

इन्स्पेक्टर : हवालदार, 47 कलमाखाला कांसव धरपाक मनाय आसा, अशें बांयंत पोसपाक मनाय ना. आनी तो कांसव मारता जाल्यार पुरावे एकटांय करचे पडटले. समजलें?

बाळा : पुरावे?

इन्स्पेक्टर : हय. कांसवांचीं कटूटींबी धरांत मेळटा जाल्यार पळोवचीं

पडटलीं.

(विनोमाम आनी बाळा वगी पडटात.)

इन्स्पेक्टर : तें कांसवाचें प्रकरण मागीर पळोवं येता. पूण ह्या कांसुल्याचेर ताचेपरस व्हडल्यो केशी आसात.

बाळा : हय सायब, म्हजे होंकलेक ताणें उबारून हाडल्या.

इन्स्पेक्टर : हवालदार, कायद्यान आजून ती तुजी बायल जावंक ना. आनी तूं ड्युटीचेर आसा. तुजी खाजगी गजाल हांगासर हाडूं नाका.

बाळा : यस सर.

विनोमाम : सायब, बाळाचें बरें आसा. पूण म्हजे धुवेक ह्या कांसुल्यान उबारून हाडल्या.

इन्स्पेक्टर : बरोबर, ताची चवकशी जातली. कांसुल्या पुलीस स्टेशनाचेर नोंद जाल्ली ही पयली केस. दुसरी केस मिसेस एकोडेन केल्या.

शौकीन : (भियेवन) किते म्हणून?

इन्स्पेक्टर : एका कांसवासारख्या मनशान डॉक्टर शौकीनाक डिस्पेन्सरींतल्यान उबारून व्हेलो. तेन्ना डॉक्टर शौकीन तिका तपासताले. हवालदार, आयज नोंद जाल्ली तिसरी केस खंयची?

बाळा : हायर सेकंडरीच्या स्कुलांतल्या चलयांनी कागाळ केल्या, तांचो एक्स्ट्रा क्लास चालू आसताना रंगनाथ मास्तराक कोणेंतरी उबारून व्हेलो. ताणीं कांसुल्याचें नांव सांगलां.

इन्स्पेक्टर : ही जाली तिसरी केस आनी चवथी केस, लग्नमाटवांतल्या त्या न्हवरे-होंकलेच्या येजमानांनी केल्या. तांगेलें लग्न कार्य चालू आसताना भरणेश्वर भटजीक थंयसावन उबारून हाडला.

बाळा : आनी ताणी सगळ्यांनी कांसुल्याचेंच नांव सांगलां.

इन्स्पेक्टर : कांसुल्या, तुजेर आशिल्ले सगळे आरोप सिद्ध जाले जाल्यार तूं खंय पावतलो तें तुकां खबर आसा?

(कांसुलो वगी रावता.) पूण हांव सगळ्याची सारखी बरी चवकशी करतलों. तुवें कांसव धरून हाडल्यात आनी हें बांयंत पोसल्यात. तुजो हेतू बरो आसा. हांकां सगळ्यांक तुवें हांगासर धरून हाडल्यात. घडये ताचेफाटल्यानूय तुजो कितेंय हेतू आसुंये. कितेंय जावं, हांव सामकी कसून चवकशी करतलों. समजलें?

WORLD KONKANI LIBARY
Accn No:004873

(कांसुलो वगी आसा.) हवालदार.

बाळा : यस सर.

इन्स्पेक्टर : डॉक्टर शौकीनाक मुखार हाड.

बाळा : यस सर. डॉ. शौकीन, अशे मुखार येयात.

(डॉक्टर शौकीन मुखार येता.)

इन्स्पेक्टर : डॉ. शौकीन, तुमी मिसेस एकोडेक तपासताले तेन्ना कितें जालें?

शौकीन : (आडखळत) ताचें कितें आसा जाणां इन्स्पेक्टर कश्यप, मिसेस एकोडेंची केस बरीच सिरीयस आसली म्हणटकूच–

इन्स्पेक्टर : तें सविस्तर सांगपाची गरज ना. मुखार कितें जालें तें सांगात.

(डॉक्टर शौकीन कांसुल्याकडेन पळयता. कांसुलो ताका दांत ओंठ किल्लून दाखोवन मारपाची धमकी दिता.)

इन्स्पेक्टर : मुखार कितें जालें डॉक्टर शौकीन?

शौकीन : तपासतां तपासतां म्हाका दिसलें, (थारता आनी येवजिता) कितें दिसलें काय म्हाका? आं, म्हाका दिसलें कांसुल्याकडेन एक पासय मारून येवची. कारण हांव तागेले फॅमिली डॉक्टर.

इन्स्पेक्टर : कांसुल्याचो फॅमिली डॉक्टर? कांसुल्याची फॅमिली केदी आसा?

शौकीन : खूब मोटी आसा. (बांयंत दाखयता) पळयात केदी आसा ती.

इन्स्पेक्टर : अच्छा! हे फॅमिलीक तूंच वखद विर्सद करता?

शौकीन : हय. तातूंत कांय तुपे प्राणी आसात आनी कांय जड्डे. जड्डे

ते हागरे आसतात. फुडले खेप हांव त्या हागऱ्यांक टांके घालून तांचीं फाटलीं धांवां बंद करतलों. आमचें अशेंच थरलां न्हय रे कांसुल्या?

(कांसुलो मान हालयता.)

इन्स्पेक्टर : पूण डॉक्टर शौकीन, मिसेस एकोडेची सिरीयस केस सोडून तुमी हांगासर कशे पावले?

शौकीन : कसो म्हणजे? डिस्पेन्सरीभायर कांसुलो हजर आसलो. ताचे फाटीर बसलों आनी सरळ हांगा आयलों.

इन्स्पेक्टर : म्हणजे कांसुल्यान तुमकां बळजबरीन हांगासर हाडूंना?

शौकीन : नाच जाल्यार!

इन्स्पेक्टर : मागीर मिसेस एकोडेन पुलीस स्टेशनाचेर अशी कागाळ कित्याक केली?

शौकीन : इन्स्पेक्टर, तुमकां सांगलें न्हय ती केस मातशी सिरीयस आसा.

इन्स्पेक्टर : हवालदार,

बाळा : यस सर. रंगनाथ मास्तर मुखार येयात.

(रंगनाथ मुखार येता. कांसुलो ताकाय नदरेंतूच धपकायता.)

इन्स्पेक्टर : रंगमाथमास्तर, तुमचे क्लासीतल्या चलयांनी कागाळ केल्या ती खरी काय फट?

रंगनाथ : इन्स्पेक्टर कश्यप, हांव एक्स्ट्रा क्लास घेतालों हें खरें. त्याच वेळार म्हाका याद जाली.

इन्स्पेक्टर : व्हदळ डॉक्टराक जाल्ली तशी?

रंगनाथ : हय तशीच. म्हाका कांसुल्याची याद जाली. कारण कांसुल्याचो पॉर्शन सोंपोवपाक जाय आसलो.

इन्स्पेक्टर : आनी त्याच वेळार कांसुलो थंय पावलो?

रंगनाथ : हय. म्हजी वाट पळोवन म्हाका सोदीत तो कॉलेजींत पावलो.

इन्स्पेक्टर : मागीर तो येनाबरोबर तुमी ताचे फाटीर घालून घेतलें.

रंगनाथ : बरोबर.

इन्स्पेक्टर : आनी तुमी नीट हांगा आयले. येन्नाधर तुमचो पॉर्शनय सोंपोवन जाला आसतलो. न्हय?

रंगनाथ : जालो. परीक्षा पासून जाली. शंबरांतले शंबर गूण दिवन कांसुल्याक पास केलो. 'कुर्मश्री बुदवंत'. इन्स्पेक्टर कश्यप, सांगपाचें तात्पर्य म्हणजे – कांसुल्यान म्हाका हांगा बळजबरीन हाडूं ना.

भरणे : (मुखार येत.) मज ठावें हाय. आतां माझी पाळी.
(कांसुलो ताका नदरेंतूच दटायता.)

इन्स्पेक्टर : सांगात भरणेश्वर, तुमी जाणटे, अणभवी मनीस, कोणांक बाडगनासताना, भियेनासताना, तकलेर कसलें दडपण दवरीनासताना सांगात.

भरणे : हो. हो. प्रमाण जावन साक्ष देतों. मग मी मेलों तरी मज त्याची पर्वा ना. अगदीं कोर्टांत साक्ष देतात तशी.
(रंगनाथ मास्तर बेगीबेगीन एक पुस्तक उबारून कोर्टांत आरोपी मुखार धरतात तशें भरणेश्वरामुखार धरता. भरणेश्वर कोर्टांत गीतेचेर हात दवरून साक्ष दितात तशी साक्ष दिता.)

भरणे : ह्या पवित्र ग्रंथावर हात ठेवून खरें तें सांगतों. खोटां सांगणार नाय.
(इन्स्पेक्टर लागीं येवन तें पुस्तक हातांत घेवन पळयता. नांव वाचता.)

इन्स्पेक्टर : कामसूत्र! वा! शाबास भरणेश्वर, आतां सांगात, त्या लग्नमाटवांतल्यान तुमकां हांगा ह्या घरांत कोणें हाडले?

भरणे : मंटपांत असा अंतरपाट धरलाय. नवरी अशी उबी. नवरा असा उबा. मी असा येथें. मंगलाष्टकां चालू. नवरा-नवरी एकमेकाच्या गळ्यांत माळा घालण्यास उत्सूक. तर त्याच वेळार माझ्या डोक्यात आलें नवऱ्या-नवरीक म्हटलें, हें बघा, आतां माळा घातल्या कीं, तुमची गांठ पडणां, तर जर तुमच्या

मनांत वेगळें काय हाय तर आतांच विचार करा. आणि मी असा गर्देंतल्यान बाजूक सरकलों. तेथेंच हा कांसुलो नजरेस पडला. त्यास म्हटलें, फाटकुळेर मारून मज असा वाऱ्यास फिरवून आण. तो बद्द मज येथें घेवून आला. जालें!

(एका दमान सांगिल्ल्यान ताका खरस मारता.)

बाळा : सगळे फटीची गजाल सांगतात. सायब, सगळे ह्या कांसुल्याक भियेल्यात.

इन्स्पेक्टर : ते कांसुल्याक कित्याक भियेतले? आनी ते तीगजाण आसले. कितें डॉक्टर शौकीन?

शौकीन : हय तर. आमी कित्याक भियेतले? न्हय रंगनाथ मास्तर?

रंगनाथ : हय तर. आमी भिवपाचो प्रश्नूच ना.

भरणे : अणी आमी मनांत आणल्यास कांसुलो आम्हास जिवंत मारणार असता – नव्हे आमी कांसुल्यास जिवंत मारला असता. नव्हे रे कांसुल्या?

(कांसुलो मान हालयता.)

बाळा : फट, सगलें फट.

इन्स्पे. : मागीर खरें कितें?

बाळा : खरें कितें तें कल्पना सांगतलें. म्हाका खबर आसा, कल्पना कांसुल्याकूय भियेना आनी कांसुल्याच्या बापायकूय भियेना.

इन्स्पेक्टर : खंय आसा कांसुल्याचो बापूय?

बाळा : खबर ना.

विनोमाम : हय इन्स्पेक्टर, म्हजी धूव खरें कितें तें सांगतली. ती बापायकूय बाडगना ती ह्या कांसुल्याक बदता? (कल्पनाक) म्हजे धुवे, खरें तें सांग. ह्या कांसुल्यान तुकां बळजबरीन कशें उबारलें कशें फाटकुळेर मारलें तें सांग. तूं भियेवं नाका. हे असले कांसुले बंदणींतूच पावपाक जाय.

बाळा : तुजी एकल्याची साक्ष पुरो. तातूंत तूं बायलमनीस. एके बायलमनशेक तिच्या मनाआड उबारून व्हरप म्हणजे 362

कलमाआड गुन्यांव. मागीर सात वर्सां बस बंदखणींत.

इन्स्पेक्टर : मिस कल्पना, कांसुल्याक पळयनासताना, भियेनासताना खरें किर्ते तें सांग. तुंवूय हांचेभशेनूच ह्या कांसुल्याचे फाटीर बसून हांगा आयलें काय ताणें बळजबरीन तुका उबारून हाडलें?

विनोमाम : सांग बाय, हो कांसुलो तुजेकडेन कशेतरेन लग्न जावपाक सोदतालो तें सांग. (ल्हवूच) ती कांसवाची गजाल नाका. ताणें तुजेर कशी बळजबरी केली तें सांग.

इन्स्पेक्टर : विन्याबाब, तें आदींच काचाबूल जालां. तुमी ताका अदीक काचाबूल करतात. सांग मिस कल्पना, ह्या मनशाक तूं वळखता?

कल्पना : (हय म्हण मान हालयता)

इन्स्पेक्टर : कांसुलो म्हणटा तो होच?

कल्पना : (हय म्हण मान हालयता.)

इन्स्पेक्टर : हो कांसुलो आयज तुमगेर आयिल्लो?

कल्पना : (हय)

इन्स्पेक्टर : ताणें आयज तुकां हडकिलें?

कल्पना : (हय)

इन्स्पेक्टर : तो तुजेकडेन उलयलो?

कल्पना : (हय)

इन्स्पेक्टर : आपूण तुजेर प्रेम करतां अशें ताणें तुका सांगलें?

कल्पना : (हय)

इन्स्पेक्टर : आपूण तुजेकडेन लग्न जातलों अशें ताणें तुका म्हणलें?

कल्पना : (हय)

इन्स्पेक्टर : तो तुजेच खातीर तुमगेर येतालो ही गजाल खरी?

कल्पना : (हय)

इन्स्पेक्टर : तुकां तो आवडटा?

कल्पना : (वग्गी रावता.)

इन्स्पेक्टर : तूं ताचेर प्रेम करता?

कल्पना : (वग्गी रावता.)

इन्स्पेक्टर : हो होंकलेचो भेस तुवें आपूण जावन केला काय तुजेर कोणें बळजबरी केल्या?

कल्पना : (वग्गी रावता.)

इन्स्पेक्टर : (आवाज चडयत) मिस कल्पना, कांसुल्यान तुकां तुगेल्या घरांतल्यान बळजबरीन उबारून हाडलें काय तूं आपूण जावन ताचेबरोबर आयलें?

बाळा : कल्पना,

विनोमाम : कल्पना, धुवे!

(इन्स्पेक्टर तांकां मुखार उलोवपाचें बंद करता.)

इन्स्पेक्टर : मिस कल्पना, हांव तुकां परत विचारतां,

(अकस्मात कल्पना तोंडार हात दवरून धांवत भितर वता.)

विनोमाम : इन्स्पेक्टर, ताणें खंयच्या प्रश्नांच्यो जापो दिल्यो आनी खंयच्या प्रश्नांचेर तें वगी रावलें हाचेवयल्यान तुमकां खरें कितें तें कळ्ळें काय ना?

इन्स्पेक्टर : ना.

विनोमाम : ना कशें तर?

इन्स्पेक्टर : तें वगी रावलें हाचो अर्थ ना वा हय असो जायना आनी तें मर्दींच भितर गेलें.

विनोमाम : भितर गेल्यार कितें जालें?

इन्स्पेक्टर : आपल्या घरांत गेल्लेभाशेन जालें.

बाळा : सायब, तुमकां कितें म्हणपाचें आसा?

इन्स्पेक्टर : तूं ड्युटीर आसा. पुलीसासारखो वाग.

बाळा : यस सर.

इन्स्पेक्टर : हवालदार,

बाळा : यस सर.

इन्स्पेक्टर : मिस कल्पनाचेर लक्ष दवर.

बाळा : यस सर. कल्पनाचेर दवरतां आनी ह्या कांसुल्याचेरूय

दवरतां.

इन्स्पेक्टर : सांगलां तितलेंच काम कर.

बाळा : (आडेच्या नेटान) यस सर. (कल्पनाचेर लक्ष दवरता.) सर, सर कल्पना भायर येता. ताच्या हातांत कितेंतरी आसा. (इन्स्पेक्टर सावध जावन पिस्तोल सांबाळून रावता. भितरसून कल्पना भायर येता. ताच्या हातांत फुलांच्यो दोन माळो आसात.)

बाळा : पळय सायब, ह्यो फुलांच्यो माळो पासून ह्या कांसुल्यान हाडून दवरल्यात. हो सगळो पूर्वनियोजित कट आशिल्लो.

विनोमाम : बाय कल्पना, सगळे पुरावे अशेच इन्स्पेक्टराक हाडून दाखय. कांसुलो कसोच सुटपाक फावना.

कल्पना : इन्स्पेक्टर सायब,

विनोमाम : आयक इन्स्पेक्टर सायब, म्हजी धूव कितें सांगता तें आयक.

कल्पना : इन्स्पेक्टर सायब, हो म्हजो बापूय एक नंबरचो नालायक.

इन्स्पेक्टर : (विन्याक) आयकलें?

कल्पना : इन्स्पेक्टर सायब, हो बाळा, हाणें म्हजेर प्रेम बी कांय करूंना. ताका दिसता, हांव हाका आयतें पडलां. हो बाळा खोंटो. वेवहारी. स्वार्थी.

इन्स्पेक्टर : मिस कल्पना, हांवें तुका तें विचारूंना.

कल्पना : खबर आसा म्हाका. आनी इन्स्पेक्टर सायब, हो डॉक्टर शौकीन, हो रंगनाथ मास्तर, हो भरणेश्वर, हे सगळे धूर्त, कपटी, फटींग, संधीसादू. हातूंतलो एकूच मनीस खरो, आनी तो म्हणल्यार कांसुलो!

इन्स्पेक्टर : मिस कल्पना, हांवें तेंवूय तुकां विचारूंना. हांवें तुकां इतलेंच विचारलां, तुकां कांसुल्यान हांगासर बळजबरीन हाडलां काय तूं ताचेवांगडा आपखोशयेन आयलां? तूं आमकां गरजेची म्हायती दिता खरी पूण व्हदळ पासून तूं मूळ विशय ताळीत आसा. आमी तुजे जापेक राबतां.

(कल्पना कांसुल्या म्हऱ्यांत वता. दोनांतली एक माळ ताचेकडेन दिता. आनी दुसरी माळ आपूण हातांत घेवन कांसुल्याच्या गळ्यांत घालता. इतलो वेळ वगी आशिल्लो कांसुलो सुमारभायर खोशी जाता.)

कांसुलो : (आड्डता) काळे-धवे आंवसुलो, जड्डो-तुपो कांसुलो. (बेगोबेग आपल्या हातांतली माळ कल्पनाच्या गळ्यांत घालता.)

इन्स्पेक्टर : मिस कल्पना, तुज्या प्रश्नाची जाप आमकां मेळ्ळी. थँक्यू! वीश यू बोथ हॅपी मॅरेज! (दोगांकूय हात दिता.)

कांसुलो : ठिंक्यू! ठिंक्यू!

(पार्श्वभागाचेर लग्नांतल्या वाजपाचो आवाज. भरणेश्वर मंगलाष्टकां सुरू करता. कांसुलो आनी कल्पना दोगांय हात जोडून उबीं रावतात. पार्श्वभागाचेर शिर्शकगीत सुरू जाता.)

(सोंपता.)

कला चेतना, वळवय निर्मित –
'कांसुलो' (2002)...

कलाकार : राजदीप नायक आनी सुचिता नार्वेकार.

कलाकार : प्रेमानंद गुरव, विठ्ठल नायक, राजदीप नायक, शेखर नायक, हेमंत कांसार, सागर नायक, सुचिता नार्वेकार आनी निलेश नायक.



वयले वयर पळोवपाक 'कांसुलो' अशिक्षीत, अनाडी, अबरगत दिसूं येता. ॲबनॉर्मलय दिसूं येता. पूण बारीकसाणेन पळयल्यार तो एक 'विशेश क्षमतेचो' युवक म्हणपाचें सिद्ध जाता.
आयच्या आधुनिक काळांतूय बार्टर पद्धतीन जियेवपी एका विक्षिप्त अशा सैमाच्या पुताची विलक्षण अशी प्रेमकथा हांगासर नाटककारान समर्थपणान उबी केल्या.

अपुरबाय प्रकाशन

ISBN 81-86488-94-4